सभापती महोदय,

**है ध्येय दूर, संसार क्रूर, मदमत्त चूर,**
**पथ भरा शूल, जीवन दुकूल,**
**जननी के पग की तनिक धूल,**
**माथे पर लेकर चल दिये हम मदमाते ।**
**देखो हम बढते जाते ।**

पंडित अटल बिहारी वाजपेयी हांच्या ह्या काव्यपंक्तींनी हांव म्हज्या अर्थसंकल्पावेल्या भाशणाक सुरवात करता.

गेल्या वर्साक ह्या सभाघरांत अर्थसंकल्प सादर करपाक हांव उबो रावलो तो गोंयच्या लोकांचो पूर्ण जनाधार घेवनच. वेंचणुकेवेळार लोकांमुखार दवरिल्ल्या जाहीरनाम्याची पुर्ती करपाखातीर जनादेश आशिल्ल्या कारणान. अर्थसंकल्पाखातीर खूब कमी वेळ उपलब्ध आसतनाय आनी ऐन वेळार म्हजो जीवलग इश्ट आनी सहकाऱ्याच्या मरणाचें दुख्ख मनांत आसतनाय हो धक्को पचोवन हांवें म्हज्या सरकाराची पुराय एका वर्साची वावरावळ आनी मुखावयल्या पांच वर्सांच्या वावरावळीची दिशा लोकांमुखार दवरली. हांवें लोकांक दिल्ल्या वचनाची परीपुर्ती करपाचो आनी लोकांनी म्हजेर दवरिल्ल्या विश्वासाचेर आनी मोठ्या प्रमाणांत दिल्ल्या जनाधाराचेर खरो उतरपाखातीर हांवें मारिल्लें तें पयलें पावल. हांव मोठ्या अभिमानान ह्या सभाघरांत सांगूंक सोदता, की अनेक अनपेक्षीत अडचणी मुखार येवन सुध्दा आमी आमच्या कार्यप्रणालीच्या बळग्याचेर कितल्योशोच लोकप्रिय येवजण्यो चालीक लावंक यशस्वी जाले.

2. सभापती महोदय, ह्या सभाघराक सांगपाक म्हाका खूप खोस भोगता की खणी बंद पडून आनी त्यामुळे येणारो महसूल बुडून, शिवाय राज्याक लागणूक आशिल्ली 190 कोटी रुपयांचें रीण फारीक करून आनी फाटल्या सरकारान फाटल्यान दवरिल्ली 1500

कोटी रूपयाची उधारी पावोवनय म्हज्या फाटल्या अर्थसंकल्पीय भाशणांत जाहीर केल्ल्यो चडांत चड म्हत्वाकांक्षी येवजण्यो राबोवपाक आमी यशस्वी थारल्या. अशें आसतनाय म्हजें सरकार आत्मसंतुष्ट जावंक सोदना, पूण गोंयकारांच्या उदरगती खातीर तशेंच कल्याणाखातीर अथकपणान वावरूंक सोदता.

3. शहा कमिशनाच्या अहवालाखातीर खाण वेवसाय बंद जाल्ल्यान अनेक तरेच्यो अडचणी आनी प्रस्न आमचे मुखार उबे रावले. खाण वेवसाय राज्याच्या अर्थ वेवस्थेचो कणो आशिल्लो हें सत्य सगळेच जाणात. आंकडेवारीच दिवची जाल्यार राज्याच्या GDP 20.21 % इतलो घटक खाण क्षेत्राचो आसा. तर राज्याच्या एकूण महसुलांतलो 22 टक्के वांटो खाण वेवसायांतल्यान येतालो. शिवाय खाण बंदीक लागून खाण वाठारांत आयिल्ल्या मंदीचो परिणाम राज्याच्या हेर येणावळीचेरूय खूब प्रमाणांत जालो. तरी आसतना येणावळींत लागीं लागीं 900 कोटी रूपयांची तूट आसुनूय आमी आमच्यो सगळ्यो लोक उपेगी येवजण्यो चालीक लावंक पावले. आनी ह्या आपत्तीचो कसलोच परिणाम आमी आमच्या सरकारी येवजण्यांचेर जावंक दिलो ना. दयानंद सामाजीक सुरक्षा येवजण, लाडली लक्ष्मी येवजण, गृह आधार येवजण, कला सन्मान येवजण अश्यो सगळ्यो येवजण्यो आमी कसल्याच अर्थिक विंवचने बगर हिरिरीन राबयल्यो. महसूल वाडीचे नवे मार्ग सोदून, विंगड विंगड जाग्यार जावपी महसूल गळटी थांबोवन, फाटली थकिल्ली वसुली करून आनी प्रशासकीय खर्च उणो करून आमी हें करूंक पावल्यात.

4. सभापती महोदय, फाटल्या काळांत अनेक प्रकल्प राबयतना बेकायदेशीर कमिशन घेवपाची वायट प्रथा पडिल्ली. ती मुळासकट नश्ट करतना आमी सरकाराची कितलीशीच येणावळ वाडोवंक पावले. उदाहरणूच दिवचें जाल्यार JICA सारख्या प्रकल्पांत सगळ्यांत उण्या निविदा धारकांकडेन फेरवाटाघाटी करून आमी प्रकल्प मोल 13 टक्के पर्यंत उणें करूंक पावले. जे वरवीं राज्याचे जवळ जवळ 40 कोटी रुपया वाचले. शिवाय कितलेशेच कडेन जावपी अनावश्यक खर्चाक आमी कात्री लायली. ताची वळेरी वाचूंक गेलो जाल्यार दीस पावचो ना.

सभापती महोदय, वायफळ खर्च थांबोवपाक आनी राज्याची येणावळ वाडोवपाक, अजून खूब कितें करपाचें आसा. त्याच दृश्टींतल्यान आमी निश्चीत अशीं पावलां मारल्यात, हें ह्या वेळार मुद्दाम सांगपाक म्हाका अभिमान दिसता.

5. सभापती महोदय, म्हज्या, 2012-13 च्या अर्थसंकल्पीय भाशणान, हांवें मार्टीन लूथर किंगाचे अवतरण quote केल्लें तें परत याद करता. ‘‘मनशाची खरी परिक्षा तेन्नाच जाता, जेन्ना तो संकश्टाच्या काळार आनी कठीण वेळारूय ताठ उबो रावता. आनी सगळ्यो सुविधा आसतना न्हय. "The ultimate measure of a man is not when he stands in moments of comfort, but when he stands in times of challenge". त्यावेळार म्हाका खबर नाशिल्ली की नियती म्हज्या तोंडांतल्यान मुखावेलें विधीलिखितूच वदोवन घेता म्हण.

6. सभापती महोदय, 2012-13 हें वित्तीय वर्स म्हज्या सरकाराखातीर जायत्या आव्हानांनी भरिल्लें आशिल्लें. खणी बंद पडिल्ल्यान, खणीर अवंलबून आशिल्ले लोक दुःखी कश्टी जाल्यात. जे लोक खणींचेर अवलंबीत आशिल्ले, तांच्या येणावळीचेर तेचबरोबर जिविकेचेर परिणाम जालो. तेच बरोबर हेर वेवसायीक उपक्रमूय मंदावले. राज्याचे तिजोरेक प्रत्यक्ष, अप्रत्यक्षरीत्यान 1400 कोटींचे लुकसाण जालें. खण आनी ते संबंदीत वावरांत सुमार एका लाखावयर लोक गुतिल्ले. तांचें काम गेल्ल्यान तांचें जिवीत तशेंच तांच्या कुटुंबांचेर मोठ्या प्रमाणांत परिणाम जाला. वित्तीय वर्स 2012-13 मदीं राज्याचे अर्थवेवस्थेक वीस हजार कोटी परस चड लुकसाण जालां. कांय मोठ्या लोकांच्या आपसुवार्थाखातीर साध्या लोकांक त्रास भोगचे पडले हें दुर्देव.

## आर्थिक विवरण

7. सभापती महोदय, हांव राज्याच्या अर्थवेवस्थेचें संक्षिप्त विवरण तुमच्या मुखार दवरता. 2010-11 त GDP 10.15% आशिल्लो तो 2011-12 वर्सा 8.94% पर्यंत सकयल देंवला. मात येणाऱ्या वर्सा ही वाड 12 टक्क्यांच्या आसपास आसतली असो म्हाका विश्वास आसा.

महोदय, 2004-05 वर्साचो GSDP Primary, Secondary आनी Tertiary पांवड्यार अनुक्रमान 9.70, 38.05 आनी 52.24 आशिल्लो. आनी स्थीर मुल्याच्या आधारार 2011-12 चो Primary, Secondary and Tertiary विभागांतली वाड अनुक्रमान -2.52, 5.84 आनी 13.85 टक्के आशिल्ली. जाल्यार 2010-11 च्या आकड्यां प्रमाण हो दर −3.15, 11.15 आनी 12.39 टक्के उरलो.

## सुधारीत आनी अदमासपत्रकी अंदाज

8. महाशय, 2013-14 वर्साचो एकूण अर्थसंकल्प Plan आनी Non Plan एकठांय करून अंदाजीत रु. 10,053.24 कोटिंचो आसा जो 2012-13 वर्सा सुदारीत अदमासाप्रमाण रु. 9148.47 कोटी आसलो, त्या पेक्षा 9.8% चड आसा. जाल्यार 2013-14 खातीर Plan Size अंदाजीत रु. 4451.91 कोटी आसतलो जो 2011-12 (सुधारीत) वर्सा रु. 3485.82 कोटी आसलो. ही वाड 27.71% इतली आसा.

9. सभापती महोदय, 2012-13 वर्साचो अर्थसंकल्प तयार करतना, सरकाराच्या महसूल आनी भांडवली हिशेबांत येणावळ आनी खर्च हाचो हांवेन फावो तो ताळमेळ बसयिल्लो. तेप्रमाण हांवें अंदाजीत महसुली तूट 82.90 कोटी रुपयांच्या आनी 755.16 कोटी रुपयांच्या अर्थिक तुटिचो अदमास केल्लो. मात वर्सभरांत अशें लक्षान आयलें कीं फाटली, केवळ Capital account ची 1350 कोटी रुपयांची अतिरिक्त थकबाकी फारीक करपाची आसली. प्रामुख्यान भौशीक बांदकाम खात्याचे 650 कोटी रुपया आनी वीज खात्याचे 280 कोटी रुपया तशेंच नव्या निवृत्ती येवजणेखातीर 160 कोटी रूपयांची थकबाकी म्हज्या सरकाराच्या माथ्यार फाटलें सरकार दवरून गेल्लें. म्हज्या सरकारान ह्या भांडवली थकबाकीतले 2012-13 त 860 कोटी रूपया फारीक केल्यात.

10. सभापती महोदय, म्हज्या सरकाराच्या माथ्यार अजुनूय आदल्या सरकाराच्या कारकिर्दींतले 450 कोटी रुपयांचें वजें आसा. मिनाखणी बंद जाल्ल्यान राज्याच्या तिजोरेचेर आनीक सुमार 600 कोटी रुपयांचें वजें पडलां. ह्या सगळ्याचो परिणाम म्हज्या

अदमासपत्रकाचेर जाला. हें सुदारीत महसूली तूट आनी अर्थीक तुटिच्या आंकड्यावेल्यान दिसून येता. महसूली तूट 82.90 कोटी रुपयावेल्यान 375.08 कोटी रुपया मेरेन पावल्या जाल्यार (Fiscal) अर्थीक तूट 755.16 कोटी रुपयावेल्यान 1457.15 कोटी रुपयांचेर पावल्या (3.74% of GDP).

महोदय, म्हज्या सरकाराच्या माथ्यार फाटल्या सरकाराचें इतलें व्हड व्हजें नाशिल्लें जाल्यार म्हजेकडेन महसुली खात्यांत अतिरिक्त निधी उरपाचो आनी अर्थीक तूट नियंत्रणांत आसपाची. जाचेवरवीं 13 व्या वित्त आयोगाची मोख पुराय करपाक म्हणजेच शून्य महसुली तूट आनी अर्थीक तुटीचो स्थर सद्याच्या 3.74 टक्क्यावयल्यान 3 टक्क्यांपरस उणो दवरप शक्य जावपाचें. वर्स 2011-12 आनी 2012-13 खातीरचो अंदाजीत Debt to GSDP Ratios 29.75 आनी 30.80 आसा. तरी आसतना हांव सभाघराक आस्वासन दिता कीं अतिरिक्त येणावळ एकठांय करून आनी गरजेभायलो खर्च टाळून म्हज्या सरकाराकडेन 2013–14 वर्सांत महसुली, भांडवली आनी अर्थीक तूट नियंत्रणांत उरतली, जेवरवीं राज्याची अर्थीक भलायकी योग्य मार्गार येतली.

2013-14 चो वर्साचो अर्थसंकल्पी अदमास नदरेमुखार दवरल्यार म्हजी अपेक्षा आसा की महसुली खात्यांत 204 कोटी रुपयांची तूट उरतली जी 2012-13 वर्सा 375.08 कोटी रुपया आसली. तेचप्रमाण भांडवली तूट 652.23 कोटी रुपया एकंदर तूट 1206.39 कोटी रुपया आनी अर्थीक तूट 1365.25 कोटी रुपया उरतली. अर्थीक तूट अंदाजीत 3.12% मेरेन पावल्या जी FRBM नेमाच्या (3%) वयर आसा. येणाऱ्या वर्साच्या काळांत हे (3%) पेक्षा कमी करपाक म्हजें सरकार प्रयत्नशील आसतलें.

राज्याच्या अर्थीक वाडीखातीर आनी उदरगतीखातीर भौशीक साधनसुविदा निर्माण करप खूब महत्वाचें आसा हाची म्हज्या सरकाराक जाणीव आसा. ताचेखातीर भौशीक निधीवरवीं सार्वजनीक कामाचेर 2014 कोटी रुपया खर्चुपाचें हांवें नियोजन केलां. हाच्याभायर गरज आशिल्लें उरिल्लें भांडवल हें खाजगी गुंतवणुकीतल्यान उबें करपाची मोख आमी दवरतात.

## शासन आनी प्रशासन

11. सभापती महोदय, ग्रीक तत्ववेत्तो आनी नाटककार सोफोक्लेस हाणें म्हणलां “I have nothing but contempt for the kind of governor who is afraid, for whatever reason, to follow the course that he knows is best for the State.” हांवूय तें मानतां म्हूण राज्याच्या बऱ्याखातीर जे जे निर्णय म्हाका घेवचे पडटले ते घेवपाक हांव अजिबात अनमनचोना हें मुद्दाम ह्या सभाघराक सांगता.

12. सभापती महाशय, पारदर्शक, प्रतिक्रियात्मक, परिणामकारक, नितीयुक्त, सर्वसमावेशक सहमतान फुडें वचपी, जापसालदार, दुसऱ्याक वाटेकार जावपाची संद दिवपी हे बऱ्या शासनाचे गूण.

कायद्याचें पालन करपी शासनान सामान्य मनशाक हो विश्वास दिवंक जाय की भ्रष्टाचार कमी जातलो. गरीब, दुर्बळ घटक आनी अल्पसंख्याक लोकांचे मत विचार लक्षांत घेवनूच खंयचोय निर्णय घेवंक जाय त्याचप्रमाणे समाजाच्या फुडारांतल्या गरजांविशयी शासन संवेदनशील आनी जापसालदार आसूंक जाय.

13. सभापती महोदय, हे सगळे गूण प्रशासनीक वावरांत हाडपाचो म्हज्या सरकाराचो यत्न आसतलो. हे दिकेन म्हज्या सरकाराचें फुडलें पावल म्हळ्यारच लोकायुक्तांची जाल्ली नेमणूक आनी राज्यांतल्या दक्षता आनी भ्रष्टाचार विरोधी यंत्रणेक घटाय हाडप. जस्टीस खांडेपारकर हांच्या फुडारपणाखाला नेमिल्ली समिती खणीच्या प्रश्नाकडेन स्वतंत्रतायेन पळयता. भ्रश्टाचाराक मात्तूय थारो दिवप ना, हें अपेक्षित लक्ष्य साध्य करपाक म्हजें सरकार वचनबद्द आसा. लोकांक तात्काळ सरकारी सेवा मेळची म्हणून प्रशासकीय सेवा लोकाभिमूख, वक्तशीर आनी पारदर्शक तशेच भ्रष्टाचार मुक्त करपाखातीर ई-टेंडरींगच्या माध्यमांतल्यान खरेदी आनी NEFT/ECS च्या माध्यमांतल्यान पैशे फारीक करप अशीं पावलां आमी उखलल्यांत.

14. हांव मानेस्त विधानसभेक आश्वासन दिता की ह्या फुडें सरकाराच्यो सगळ्यो अर्थीक सवलती 'आधार कार्डा' प्रमाण दितले आनी सगळ्या नव्या लाभधारकांक ह्यो सोयी आधार कार्डाचेर वा नोंदणीचेरूच दितले.

15. लोकाभिमूख तशेंच बेगोबेग आनी सकारात्मक तरेन जाप दिवपी शासन घडोवपाखातीर बरी, नितीसंपन्न, पारदर्शक आनी जापसालदार शासकीय यंत्रणा दिवन मनुश्यबळाक तशेंच संस्थेच्या तांकीक घटाय हाडपाखातीर शासकीय वेवस्थेची पुनर्बांधणी, पुनःस्थापना तशेंच बऱ्या तरेन मांडावळ करपाखातीर म्हजें सरकार प्रयत्नशील आसतलें.

16. सभापती महाशय, हाचोच एक भाग म्हणून अखील भारतीय सेवेंतले अधिकारी, लोकांप्रती संवेदनशील आनी उत्तरदायी आसचे म्हणून आमी सगळ्या अधिकाऱ्यांखातीर कोंकणी शिकोवपाची कार्यशाळा घेतली. तशेंच ह्यामुखार Management information system चालीक लावन सगळ्या सरकारी खात्याच्या मालमत्तेची वळेरी करून ताचें वेवस्थापन करपाची म्हजी मोख आसा. जाका लागून सरकारी महसूल वाडटलो आनी सरकारी जमनीवेलीं अतिक्रमणां थांबतलीं.

17. सभापती महोदय, 2010-11 ह्या वर्सा फकत 50 हजार रूपयांची तरतूद आशिल्लें भौशीक कागाळी खातें जिवंत करप म्हळ्यार लोकांच्या कागाळीची योग्य ती दखल घेवप. म्हणून आमचें सरकार ह्या वर्सा ह्या खात्याक 1 कोटी रूपयांची तरतूद करता. तशेंच ह्या विधानसभेच्या अधिवेशनांत आमचें सरकार Service Guarantee Act मांडटलें. ज्या वरवीं जनतेक प्रशासना कडल्यान सेवा मेळचे खातीर कायदेशीर तरतूद निर्माण जातली.

18. सभापती महोदय, दक्षता खात्याक योग्य तें मनुश्यबळ आनी आवश्यक अधिकार तशेंच आर्थिक बळ ह्या सरकारान पुरोवपाची वेवस्था केल्ली आसा. म्हणून 2011-12

वर्सा 71 लाख रूपया आशिल्लें बजेट वाडोवन 525 लाख रुपया ह्या वर्साक पुरयल्ले आसात. ह्या खात्यान भ्रश्टाचाराची माहिती दितल्यां खातीर दवरिल्ल्या ईनामाची रक्कम 80 हजारांवयल्यान 25 लाखा मेरेन वाडयल्या हें सांगपाक म्हाका आनंद जाता. सर्वोच्च न्यायालयाचे निवृत्त न्यायाधीश बी. सुदर्शन रेड्डी हांचो लोकायुक्त म्हण सोपूतविधी 16 मार्चाक जाल्ल्या कारणान, लोकायुक्तांच्या संदर्भांतलें आश्वासन पूर्ण करपाक यश आयलां. लोकायुक्त कायद्यान योग्य ते बदल करपाचो यत्न सरकार बेगीनांत बेगीन करतलें हें हांव हांगा नमूद करूंक सोदता.

19. सभापती महोदय, अर्थसंकल्पीय स्त्रोत योग्य तरेन लोकांमेरेन पावचो तशेंच ह्या वावराक विश्वसनीयता, पारदर्शीपणा मेळचो म्हणून आमी विशेश प्रयत्न करतले तशेच 2014 -15 सावन म्हजें सरकार Zero Based Budgeting सूरू करतले. हाका लागून खात्याक तांच्यो येवजणी आनी तेवयलो खर्च Justify करचो पडटलो तशेच खात्याक दिल्लें बजेट योग्य मार्गात पावता हें दाखोवन दिवचे पडटलें. काळाच्या कसवटेर चड वेळ टिकूक शकना अशे येवजण्यो आणि ज्या उद्देशापासत तयार केल्यो तो उद्देश गांठूक अपयशी ठरल्यात अश्या येवजण्यांचो फेरविचार जातलो.

**खण वेवसाय**

20. सभापती महोदय, खाण बंदीक लागून त्या वाठारांतल्या लोकांचें पुराय जनजीवनूच विस्कळीत जालें. कितलेशेच लोक नोकरेक मुकल्यात, खाण वेवसायाचेर आधारीत आशिल्ले लोकांचे धंदे बंद जाल्यात. लोकांचें उदरनिर्वाहाचें साधनूच ना जालां. आनी त्या वाठारांतलो सगळो लोक अर्थिक विवंचनेंत सांपडला. तांचीं रीणां थकल्यांत. त्या वाठारांतल्या सहकारी संस्था, बँक आनी हेर अर्थिक संस्थांचें अर्थिक संतुलन पुरायपणान हाललां. थंयच्या लोकांमुखार उपजिविकेचोच न्हय तर जीवन मरणाचो प्रस्न उबो रावला.

महोदय, अशा वेळार ह्या लोकांक आधार दिवप हें हांव म्हजें कर्तव्य समजता. मानवी शोकांतिका हाताळटना खंयच्याच प्रकारचीं वैयक्तीक मतां आनी दृश्टीकोन मदीं

येवंक फावना. ह्या राज्याचो खंयचोय समजदार नागरीक, मागीर ताचें खाण वेवसायबद्दल कितेंय वेगळें मत आसूं; एक मान्य करतलो की ह्या वेळार ह्या लोकांक आधाराचो हात आमी दिवंकूच जाय. ज्या लोकांनी दुशीत वातावरण, आरोग्याची हानी, शेताची हानी, निसर्गाची हानी, अश्या सगळ्या गजालींक सामकारा वचून हर तरेच्यो वेदना भोगून, राज्याच्या महसुलांत भरीव योगदान दिलें तांकां ह्या वेळार मदत केली ना जाल्यार आमी कृतघ्न थारतले. म्हणून सभापती महोदय, ह्या लोकांच्या पुनर्वसनाखातीर विंगड विंगड येवजण्यो चालीक लावपाखातीर सुरवातेक हांवें एकूण 140 कोटींची तजवीज केल्या. ज्या लोकांचे उपजिविकेचें साधन ना जालां आनी जांचे लागीं दुसरो कसलोच पर्यायी कामधंदो सोदपा खातीर वैयक्तीक कुशळटाय ना, तांच्या खातीर विंगड विंगड येवजण्यो चालू अर्थिक वर्सा सरकार चालीक लायतले. टिप्पर आनी बार्ज मालकांखातीरची येवजण आनी ज्या लोकांची नोकरी खाण बंदीक लागून गेल्या तांकां अर्थिक सहाय्य दिवपाची येवजण म्हज्या सरकारान ह्या पयलींच अधिसुचीत केल्या. त्यो बेगोबेग चालीक लावपाचो म्हजो यत्न आसतलो. त्याच बरोबर बार्ज मालक, कुशळ कामगार, शेतकाऱ्यांखातीर वेगळी येवजण बेगितल्या बेगीन चालीक लावपाचो म्हजो यत्न आसतलो. अश्यो वेगवेगळ्या लोकांखातीर विविध येवजण्यो चालीक लावन ह्या लोकांक परतें जीवनाक सामकार वचूंक उबें करपाक आमी कटीबध्द आसा. हें करतना एका व्यक्तीक एकाच येवजणेचो लाव मेळटलो आनी खंयच्याच येवजणेचो दुरूपेग जावंचो ना हाची दक्षताय आमी घेतले.

सभापती महाशय, तेच बरोबर सर्वोच्च न्यायालय राज्यांतल्यो सगळ्यो कायदेशीर खणी चालू करपाक बेगितल्या बेगीन परवानगी दितले अशी आस्त हांव बाळगितां.

सभापती महाशय, खणबंदीन राज्याचो फकत महसूल बुडलो इतलेंच न्हय तर आमकां आमची सगळी शक्ती ह्याच कामाक खर्च करची पडली. न्यायालय आनी शहा कमिशन हांच्या वेगवेगळ्या प्रस्नांक जापो दिवप, खाणी संबंदीचीं सगळीं आंदोलनां हाताळप, बेकायदेशीर खाण वेव्हारांत गुंतिल्ल्यांचेर कारवाय करप हातूंतच आमची पुराय

शक्ती खर्ची पडली. तरी हळुहळू परिस्थिती जाग्यार येता. आनी येणाऱ्या काळांत सगळे गुन्यांवकारी आनी ह्या बेकायदेशीर गजालीक जबाबदार मनशांचेर आमी योग्य कारवाय करतले असो स्पश्ट संकेत हांव ह्यावेळार दिता. महोदय, राज्यांत खाण बंदी आसूनय आमी खाणीच्या 'लीज' नुतनीकरणांतल्यान 239 कोटी रुपया वसूल केले. ह्या सभाघराचे हांव मुद्दाम नदरेक हाडून दिवपाक सोदतां कीं फाटलीं 25 वर्सां ही रॉयल्टी वसुलूच करूंक नाशिल्ली. आनी सगळ्यो खणी फुकट म्हणजेच Deemed Clause चेर चलताल्यो. लीज नुतनीकरणांतल्यान अजुनूय आनीक जवळ जवळ तीनशें कोटी रुपया येणाऱ्या अर्थिक वर्सा वसूल जातले अशी म्हाका आस्त आसा. जेवरवीं खाण 'रॉयल्टीं'तल्यान येवपी महसूल चुकलो तरी थोडो महसूल आमी 'लीज' नुतनीकरणांतल्यान उबारूंक शकतले.

**महिला आनी बाल विकास, समाजकल्याण आनी आदिवासी कल्याण**

21. सभापती महोदय, आपल्या प्राणाची पर्वा करिनासतना ज्या सुटके झुजाऱ्यांनी आमचें गोंय मुक्त केलें तांकां तांचे जाण्टे पिरायेर मदत करप हें आमचें कर्तव्य जावन आसा. त्याखातीर भलायकेच्या बारीक त्रासांखातीर दर म्हयन्याक 1000 रुपया वैजकी भत्त्याच्या रूपान दिवपाची तरतूद हांवें ह्या बजेटान केल्या. तशेंच तांच्या भलायकेच्या मोठ्या दुखण्यांखातीर तांकां मेडिक्लेम येवजणेंचोय लाव मेळटलो. सुटकेझुजाऱ्यांच्या भुरग्यांखातीर राखून दवरिल्ल्या सरकारी नोकऱ्यांक जायरात केल्ल्या विंगड विंगड पदांखातीर भोव थोडे पात्र उमेदवार मेळटात. तेखातीर हांव तात्काळ अंमलांत हाडपाखातीर एक खाशेली येवजण सुचयता. सरकारी नोकरेक पात्र आशिल्ल्या सुटके झुजाऱ्यांच्या सगळ्या भुरग्यांची खासा नोंदणी करून 5 टक्के पदां पात्र उमेदवारांखातीर आरक्षीत करतले. ज्यावरवीं नोकरेखातीरची पुराय वळेरी 18 म्हयन्यां भितर निकालांत काडपाचो म्हजो यत्न आसतलो. ही येवजण अंमलांत येतकूच 2 टक्के Reservation in Jobs for Freedom Fighters Ward will be withdrawn.

22. सरकारान 2002 वर्सा दयानंद सामाजीक सुरक्षा येवजण Freedom from hunger ह्या घोशवाक्यासयत सुरू केल्ली. राज्यांतल्या कमकुवत घटकांक ही येवजण मोठ्या प्रमाणान फायदेशीर थारली. त्याच बरोबर कांय लोक चुकीची म्हायती दिवन ह्या येवजणेचो लाव घेतात हेंवूय हांवें पळयलां. कांय लाभार्थींच्या मरणा उपरांतूय ही येवजण चालूच उरता हाचेरूय तात्काळ लक्ष दिवपाची गरज आसा. मरण पाविल्ले आनी संपर्क जावंक नाशिल्ल्या 4,400 लोकांचीं नांवां खात्यान वगळ्ळ्यांत. ही येवजण वेवस्थीत चलपाखातीर सगळ्या लाभार्थींचो नियाळ करून अपात्र आनी मरण पाविल्ल्या लाभधारकांचीं नांवां रद्द करचीं तशेंच हे येवजणेक आधार कार्ड / जिवो आशिल्ल्याचें प्रमाणपत्र जोडून घेवपाची म्हजी इत्सा आसा. म्हाका खात्री आसा की त्या नंतर सुमार धा ते बारा टक्के लाभार्थी गळटले आनी वळेरेंत आशिल्ल्या खऱ्या लाभार्थ्यांक हे येवजणेंत सामावन घेवंक मेळटलें. अपघात, सोरो वा हेर वेसनांक लागून घरकार मरण पाविल्ल्यान विधवा जाल्ल्यो जायत्यो बायलो ह्या येवजणेचो लाव घेतात. तांचे खातीर नवें लांब पल्ल्याचें (long term) आरोग्य धोरण राबोवपाचो म्हजो विचार आसा. डायबिटीस, ब्लड प्रेशर आनी हेर दुयेंसांनी त्रस्त आशिल्ल्या वरिश्ठ नागरीकांक वखदांखातीर 500 रुपयांची वाड करपाचें हांवें थारायलां. ही वाड 1 जुलयसावन सुरू जातली. सरकारी दोतोराचें प्रमाणपत्र सादर केल्या उपरांत ही अर्थिक मदत मेळटली. 500 रुपयांची वाड सगळ्यांखातीर न्हय तर नेमान वखदांची गरज आसपी (डायबिटीस, हायपरटेन्शन वा हेर) गरजू वरिश्ठ नागरीकांकूच मेळटली.

23. पारंपारीक पदेरांखातीर खासा येवजण ह्या वर्सा सरकारान चालीक लायली आनी ती मुखार चड नेटान चलची ह्याखातीर ह्या अर्थसंकल्पांत 8 कोटी रुपयांची तरतूद आमी केल्या.

24. सभापती महोदय, लाडली लक्ष्मी ही येवजण सगळ्यांक आवडल्या. ज्यो चलयो लग्न जाल्यात वा जांणी वयाचीं 18 वर्सां पुराय केल्या अश्या एकूण 7399 चलयांनी ह्या येवजणेखातीर अर्ज केल्ले आनी आतांमेरेन 3508 चलयांनी ताचो लाव घेतला. ह्या

म्हयन्या अखेरपर्यंत 4000 चलयांक ताचो लाव मेळटलो. ह्या वर्सा ह्या येवजणेखातीर हांवें 100 कोटी रूपयांची तरतूद केल्या. ह्या येवजणेचो लाव घेवपाखातीर आवश्यक आशिल्ल्या निवासी दाखलो (Residence Certificate) मेळोवपाक येवपी अडचणी पयस करपाक हांव सकयल दिल्ले प्रमाणें दुरूस्ती करपाक सोदता.

1. जांचे बापूय राज्य वा केंद्र सरकाराचे नोकरेंत आसात तांकां निवासी दाखलो दाखल करपाची गरज आसची ना. तांणी आपल्या खात्याच्या मुखेलीकडल्यान 25 वर्सां काम केल्ल्याचो दाखलो सादर करचो पडटलो. मात फायदो मागपी चलयेचो जल्म आनी धावी मेरेनचें शिक्षण गोंयांतूच जाल्लें आसचें पडटलें.
2. चलयेच्या लग्नाक घरच्यांची संमती नासप वा हेर कसल्याय कारणाक लागून लग्नाक घरच्यांची आडखळ आसप, अश्यो केसी समितीचे संमतीन सुटाव्यो जातल्यो.
3. जर एखादी चली आपल्या वयाच्या 21 वर्सा उपरांत ताका मेळिल्ले पयशे वेवसायाखातीर किंवा शिक्षणाक वापरूंक सोदता तर संबंदीत समितीच्या पूर्व परवानगेन ते वापरपाची मेकळीक आसतली.

25. आमी सुरू केल्ली गृह आधार येवजण खूब फामाद जाल्या. ह्या येवजणेचो लाव घेवपाखातीर आतांपर्यंत आमचेकडेन एकूण 68,822 अर्ज आयल्यात. आनी तातुंतले आतांमेरेन 30,126 अर्ज आमी मंजूर केल्यात. दर म्हयन्याक सुमार 10 हजार अर्ज निकालांत काडटले. आनी हें वर्स सोंपता म्हळ्यार हे येवजणेखाला 1 लाख बायलांक ताचो फायदो मेळटलो. ह्या खातीर 80 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या आनी गरज पडल्यार आनीकूय पयशांची तरतूद करतले.

26. सभापती महोदय, अंगणवाडी सेविका आनी मदतनिसांचे सगळे प्रस्न बेगोबेग सोडोवपाचो म्हजो विचार आसा. सध्याक वेगवेगळ्या पांवड्यावयल्या सेविकांचें एकूण मानधन 7000 ते 15000 रुपया तर मदतनिसांचे एकूण मानधन 4500 ते 7500 रुपया पर्यंत वाडोवपाचो म्हजो विचार आसा. तशेंच तांचे रिटायर्डमेंट बेनिफीट सेविकांखातीर

दोन लाख रुपयांवयल्यान तीन लाख रुपया तर मदतनिसांखातीर 1 लाख रुपयांवयल्यान 1.50 लाख रुपयांमेरेन वाडोवपाची हांवें तजवीज केल्या.

27. सभापती महोदय, गेल्या वर्सा आदिवासी कल्याण खात्याक बऱ्या पैंकी अर्थिक तरतूद म्हज्या सरकारान केल्ली. पूण सुरवातीकूच सगळें प्रशासकीय आडमेळें पयस करपा खातीर जवळ जवळ वर्स सोंपत आयलें. ह्यावेळार अनेक येवजण्यो शिक्षणीक, भलायकी, वेवसाय अशा गजालींखातीर राबोवपाक सुरवात जाल्ली आसा. घरा बांदपाक अटल आसरो येवजण हाची अंमलबजावणी सुरू जाल्या. हाचेखातीर 25 कोटींची तरतूद ह्या बजेटान हांवें केल्ली आसा. अनुसुचीत जमाती भुरग्यांखातीर शिश्यवृत्ती म्हण जवळ जवळ 15  कोटींची वेवस्था आनी आश्रम स्कुलाखातीर 6 कोटींची आनी हॉस्टेला खातीर 40 लाखांची तरतूद अर्थसंकल्पांत केल्ली आसा. त्याभायर Irrigation, उद्देग-धंदे, रस्ते, साधन सुविधा, संस्कृती भवन शिवाय अनुसुचीत जमाती विकास  महामंडळा खातीर केल्ली 15  कोटींची तरतूद धरून 270  कोटींची एकूण तरतूद ह्या खात्याखातीर केल्ली आसा. ह्याशिवाय  अन्य खात्यांनी ST Componant हिशोबान घेतलो जाल्यार 300 कोटीं परस चड रक्कम अनुसुचीत जमाती भावांखातीर दिवपाक म्हाका खूब आनंद जाता.

**शिक्षण**

28. ॲरिस्टोटलान म्हणलां, The educated differ from the uneducated as much as the living differ from the dead. शिक्षणाचें म्हत्व ह्यापेक्षा वेगळ्या शब्दांत हांवें सांगपाची गरज ना. सभापती महाशय, समाज कल्याणाचो विशय हाताळल्या उपरांत हांव आतां म्हत्वाच्या अशा शिक्षण ह्या विशयाचेर उलयता.

29. महात्मा गांधीजीन सांगलां कीं चारित्र्याबगर आशिल्लें गिन्यान हें विध्वंसाकडेन व्हरता. सद्याच्या चलिल्ल्या परिस्थितीचेर विचार केल्यार हाचेपेक्षा बरीं उतरां सद्याचे स्थितीचें विवरण करपाक मेळना. सगळ्या देशांत चडांत चड खर्च करूनय गोंयांतल्या

आयच्या शिक्षणाविशीं दर्जात्मक आनी मुल्याधिश्टीत शिक्षणाच्या मेजमापाचेर जितल्या पांवड्यार येवंक जाय तितलें तें येवंक ना हाचें म्हाका दुख्ख आसा.

30. शिक्षणमंत्री म्हण म्हाका दिसता की खात्याची भुमीका ही प्रशासकाची जावन आसा आनी दर्जेदार वांटो दिवपाचें काम आमी ह्या क्षेत्रांतल्या / वाठारांतल्या तज्ञाकडेन सोपोवपाक जाय. म्हाका पुराय जाणीव आसा की MOI ह्या विशयाचेर सगळ्यांच्यो भुमिका ह्यो संवेदनशील आसात. जरी आमकां तात्पुरतें कामचलाऊ उपाय मेळ्ळे तरी समाजाच्या फुडाराखातीर कायमस्वरूपी उपाय करप ही काळाची गरज जावन आसा. ह्या पासत RTE कायद्याच्या खाला येणाऱ्या 3-4 म्हयन्यांत हांवें सल्लागार परिशद (Advisory Council) स्थापन करपाचें थारायलां. जाका लागून चालू शिक्षणीक वर्साभीतर ह्या संवेदनशील विशयाचेर आमकां कायमस्वरूपी उपाय मेळटलो. ह्या संदर्भान, हांव सगळ्यांकडेन मागता की तांणी मात्सो संयम बाळगुचो आनी कसल्याय झगड्यां - तंट्या शिवाय हो वाद सदां सर्वकाळ सोंपोवपाक म्हाका मदत करची.

31. म्हजो पूर्ण विश्वास आसा की जर भुरग्याक ताचें मुळावें शिकप आवय-भाशेंतल्यान मेळ्ळें जाल्यारच भुरग्याचो सर्वांगीण विकास घडोन येता. ह्याखातीर कोंकणी/मराठी भाशेतल्या सगळ्या पूर्व-प्राथमीक शाळांक आदार दिवपाचें आमी ठरयलां. मात ह्या शाळांनी मूलभूत सुविधा आसपाची गरज आसा.

प्रत्येक पूर्व-प्राथमीक शाळेक, योग्य मान्यता मेळटकीच तांचो वित्तीय ताण ना करपा पासत दर म्हयन्याक रु. 15000 चें सहाय्य दिवपाचें आमी ठरयलां. मात सरकारान थारायिल्ल्या निकशांची पूर्तता तांकां करची पडटली. हातूंत कोंकणी / मराठींतल्यान शिकोवपाच्या माध्यामाचोय आसपाव हो महत्वाचो आसतलो. मात हें अनुदान शिक्षकांखातीर वेतन अनुदान आसचें ना आनी शिक्षकांच्या वेतनाचो खर्च प्रत्येक वेवस्थापनाक उबारचो पडटलो. हांवें ह्या अदमासपत्रकांत दोन कोटी रुपया ह्या येवजणेक दवरलेले आसात.

32. मुळाव्या पांवड्यार कोंकणी/मराठी शिक्षणाच्या वाडीखातीर हाचे पयलींच आमी कोंकणी/मराठींतल्या माध्यमाची नवीन शाळा सुरू करपाखातीर विशेश अनुदानाची येवजण केल्या. जातूंत रू. 12 लाख साधनसुविधा अनुदानाखातीर आनी बिगर वेतन अनुदानाखातीर एक लाखाचो वर्सुकी आदार दितात. ह्या भायर सर्वसादारण वेतन अनुदानाखातीरय ह्यो शाळा पात्र आसात.

33. ह्या सभाघराक हांव कळीत करता की राज्यांत एकूण 68 नवीन प्राथमीक शाळा कोंकणी / मराठीच्या माध्यमांतल्यान सुरू करपाखातीर आमी परवानगी दिल्या. हाका लागून कोंकणी/मराठी शाळांचो आंकडो 115 इतलो वाडला. ह्या शिक्षणीक वर्सा कोंकणी /मराठींतल्यान शिक्षण दिवपी ह्या शाळांक लागून कोंकणी/मराठी विद्यार्थ्यांचो आंकडो बरोच वाडटलो.

हांवें ह्या अदमासपत्रकांत 2.5 कोटी रुपयांची तरतूद ह्या येवजणेखातीर केल्ली आसा.

34. म्हज्या सरकारान शिक्षणीक मळाचेर कितलेशेच प्रलंबीत विशय जे फाटल्या कांय काळासावन घुस्पून आसले ते सुटावे केल्ले आसात आनी खंयच्योय प्रलंबीत सेवा वा प्रशासकीय विशय हें वर्स सोंपचे पयलीं सुटावे करपाचो म्हजो पण आसा.

बी.एड. शिक्षक, वेवसायीक शिक्षक, संगणक शिक्षक हांचे आनी ह्यासारखे विंगड विंगड विशय सुटावे करपाखातीर खातें सक्रिय आसा. आनी फुडल्या कांय म्हयन्याभितरच ते पुराय प्रस्न सुटावे जातले.

35. शाळांक गरजेभायल्यो प्रशासकीय गुंतागुंती सोंसच्यो पडटात त्यो सरकारान उण्यो करपाचें थारायलां आनी तज्ञाचो आसपाव करून शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करपाचें थारायलां.

ह्या पासत आमी सकयले उपाय येवजल्यात.

1. चडशा संस्थांच्या बाबतींत शिक्षक भरतीची NOC 10/7/5 वर्सांखातीर automatic आसतली. आनी तेच तरेन उच्च माध्यमीक शाळांक लेगीत हीच पध्दत हाचें फुडें लागू करपाचो आमचो विचार आसा. सगळ्या तरेच्या हिशेबाच्यो कटकटी आनी वाद उणे करपाखातीर बिगर वेतन अनुदानाची सांगड/मेळ वेतन अनुदानाकडेन घालतले. पूण अशी जतनाय घेतले कीं खंयचेच संस्थेक आतांमेरेन मेळटा ताचेपरस उणें अनुदान मेळचें ना.
2. शाळेच्या पटसंख्येचेर आदारून दर म्हयनो रु. 15,000 ते रु. 25,000 इतल्या अतिरिक्त रकमेवांगडा प्राथमीक शाळेक वेतन अनुदान तशेंच बिगर वेतन अनुदान दितले. मात हें अनुदान वेतन अनुदान म्हण मेळचें ना. (Free grant not linked to salary) ह्या अनुदानाखातीर 2 कोटींची तरतूद केल्या.
3. प्रशासकीय ताण उणो करपाक आनी शिक्षणीक वर्सावेळार निवृत्तीच्या जाग्यार नव्या शिक्षकांची भरती सोपे आनी सुटसुटीत पध्दतीन करपाक वयर दिल्ल्यो आनी हेर कितल्योशोच सुदारणा/दुरुस्त्यो केल्ल्यो आसात. शाळा वेवस्थापनाक गरज आसल्यार शिक्षणीक वर्साच्या मदल्या खिणाक निवृत्त जावपी शिक्षकांक सेवावाड दिवपाक शकतले. फकत त्याखातीर खाजगी वेवस्थापनांक सरकारान रीतसर परवानगी दिल्या उपरांतूच हो अधिकार वापरपाक मेळटलो.

36. सभापती महाशय, दर एक माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक विद्यालयांत समुपदेशक (Councillor) नेमपाची येवजण हांव विशेश भर दिवन चालीक लावंक सोदता. तेचप्रमाण नववी पर्यंतच्या अभ्यासक्रमांत योगा आनी अन्य शिक्षणाचो ऐच्छिक विशय म्हूण आसपाव करपाक सोदता.

37. सभापती महोदय, हांव खाजगी शाळांखातीर साधनसुविदा उबारपाक प्राथमीक शाळांखातीर 50 लाख, माध्यमीक शाळांखातीर 1 कोटी आनी उच्च माध्यमीक शाळांखातीर 2 कोटी रुपया रीण तथा अनुदान दिवपाची तजवीज करूंक सोदता.

38. महोदय, भारतीय जैन संघान, शिक्षण खात्यांत हाचे आदी मोलादीक वावर शिक्षणीक मळार केला तांचो वापर करून हांव मूल्याधिश्ठीत (value) शिक्षण आनी सातत्यपूर्ण आनी सर्वंकश मूल्यमापन येवजण (CES) चालीक लावंक सोदता जाचेवरवीं यत्ता आठवी मेरेनच्या नापास न करपाच्या धोरणाक लागून ज्यो अडचणी उप्रासतात ताचेर आमी मात करपाक शकतले.

39. सभापती महोदय, सगळ्या सरकारी शाळांच्या दुरुस्तीचो वावर गोंय राज्य साधनसुविधा विकास म्हामंडळावरवी हातांत घेतलें. गोंय स्वातंत्र्या उपरांत बऱ्याच जमीन मालकांनी शिक्षणाच्या प्रसाराखातीर शाळा उबारपाक आपल्यो जमनी दान दिल्यो. मात त्या जमनीचें Gift deed partition जावंक ना अशा सगळ्या जमनीच्या वादांत सांपडिल्ल्या शाळांचो प्रस्न हांव ह्या वर्साभितर सुटावो करपाचो यत्न करतलो.

शालेय शिक्षणीक दीस थारावन दिल्ले आसतनाय ताची फावो तशी अंमलबजावणी जायना अशें दिसून आयलां. हाचेमुखार शिक्षणखात्याच्या नेमाप्रमाण ज्या शाळांचे शिक्षणीक दीस जांवचेना तांचेर कारवाय जातली. हांव शिक्षणीक दिसांची खरपणान अंमलबजावणी जातली हाची खात्री दिवंक सोदता.

40. शालेय विद्यार्थ्यांक आपल्या घराशेजारच्या विद्यालयांत प्रवेश मेळपाक त्रास जाता अश्यो कागाळी पालकांकडल्यान येवपाक लागल्यात. शिक्षण खातें आतां घरा शेजारच्या शाळेत प्रवेश दिवपासंबंदिची संकल्पना खरपणान राबयतले आनी ते नदरेंन फावो तीं पावलां उबारपाचो आदेश खात्याक दिला.

41. महोदय, फाटल्या दोन वर्सांत ज्या विद्यार्थ्यांक लॅपटॉप मेळूंक नाशिल्ले तांकां ते दिवपाची प्रक्रिया पुराय जाल्या. अंदू वर्सा जून 2013 त अकरावीच्या भुरग्यांक लॅपटॉप जाल्यार 5 वी आनी 6 वीच्या भुरग्यांक नोटपॅड (Notepad) चो लाव मेळटलो.

अकरावेच्या 16000 भुरग्यांक लॅपटॉप तर 5 वी आनी 6 वीच्या 50000 भुरग्यांक नोटपॅड (Cyber Students Scheme) येवजणेखाला मेळटले. फुडल्या दोन वर्सां भितर माध्यमीक शाळेच्या विद्यार्थ्यांक CSS येवजणेखाला नोटपॅड पावयतले.

42. भुरग्यांक ल्हान वयार समाजाच्या निकशाचेर वेगळी वागणूक दिली जाल्यार ह्या फुडल्या काळांत सामाजीक फूट पडपाची शक्यता आसता. म्हणून ST आनी OBC तशेंच हेर सगळ्या भुरग्यां खातीर बालरथ येवजण चालू केली. फाटल्या वर्सा 84 बालरथ दिल्यात.

अंदू वर्साच्या जून म्हयन्यांत 100 बालरथ विद्यालयांक मेळटले. बालरथाखातीरची अनुदानाची प्रक्रिया सुटसुटीत केल्या. सरकारी विद्यालयांक ही येवजण चालीक लावपाखातीर 14 कोटी रुपयांचें अनुदान आमी कदंब महामंडळाक दितले.

43. सध्या मध्यान आहार येवजणेचो लाव पयली ते आठवी मेरेनच्या विद्यार्थ्यांकूच मेळटा. फुडल्या शिक्षणीक वर्सासावन या येवजणेखाला नववी आनी धावी यत्तेच्या विद्यार्थ्यांचो आसपाव करपाचें हांव आयज जाहीर करतां.

राज्यांतल्या अनुदानीत शिक्षणीक संस्थांखातीर मध्यान आहार येवजणेंत खाणाची पुरवण करपाची जबाबदारी त्या त्या शिक्षणीक संस्थांकडेन दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा.

44. सभापती महोदय, जे शिक्षक 58 वर्सांचेर निवृत्त जाले आनी जाका लागून तांकां 2 वर्सांची सेवा आनी संबंदीत अर्थिक फायदे मेळूंक शकले नात तांच्या प्रस्नांची हांवें दखल घेतल्या आनी तो योग्य तरेन सुटावो करपाखातीर हांव बेगोबेग यत्न करतलो. आनी मे अखेर मेरेन हो प्रस्न सुट्टलो हें पळयतलो.

**उच्च शिक्षण**

45. सभापती महाशय, विद्यापीठाक अनुदान म्हणून ह्या वर्साक आमी 29 कोटींची तरतूद केल्या. गरज पडल्यार हातूंत वाडूय जावपाक शकता.

गोंयच्या सरकारी महाविद्यालयांचो दर्जो वाडोवपाचे नदरेन खांडोळा/सांखळी/केपे महाविद्यालयांखातीर वाडीव साधनसुविधा उबारपाचो वावर हातांत घेतला. अंदूवर्सा पेडणे महाविद्यालयांचो दर्जो वाडोवपाचे नदरेन वाडीव साधनसुविधा उबारपाचो वावर हातांत घेतला. मडगांवा सुरू जाल्ल्या नवीन महाविद्यालयाखातीर परिपूर्ण अशी नवी इमारत बांदपाची येवजण आमी चालीक लायतले.

46. बर्सरी शिश्यवृत्ती अंतर्गत जांच्या पालकांची वर्सुकी येणावळ 3 लाखांपरस उणी आसा अशा भुरग्यांक 30 हजारांपरस उणी गरज आशिल्ल्यांक नादरी शिश्यवृत्ती दितले. हाचेखातीर 2 कोटींची तरतूद केल्या.

ज्या विद्यार्थ्यांक मुखावयलें शिक्षण घेवपाखातीर 30 हजारांपरस चड अर्थीक मदतीची गरज आसा तांकां व्याज विरयत रीण (Interest free loan) दितले.

47. राज्यांत शिक्षणीक ‘हब’ उबारपाचो म्हजो मानस आसा. जाचेवरवीं आवश्यक गरजेच्यो सगळ्यो सुविदा उपलब्ध जातल्यो आनी दर्जात्मक विद्यापीठांची ताचेखातीर निवड करतले जीं आपलीं आस्थापनां शिक्षणीक ‘हबां’ स्थापीत करतले.

48. सध्याच्या व्याजविरयत रीण येवजणेची मर्यादा हांवें देशाभायर शिकपाखातीर गेल्या वर्सा 4 लाख रुपयावयल्यान 8 लाख रुपया केल्या. तर देशांत शिक्षण घेवपाक 1 लाख रुपयावयल्यान 3 लाख रुपया केल्या.

गोवा स्कॉलर येवजणेखाला लाबधारकांची संख्या गेल्या वर्सा 15 वेल्यान 20 केल्या, आनी या येवजणेखाला चडान चड चलयांक फायदो जावचो हेखातीर

चलयांखातीर वेगळे जागे दवरून चडान चड चलयांक सन्मानीत करपाचो आमचो हावेस आसा. गरज आसा ती फकत चडान चड चलयांनी अर्ज करपाची. या येवजणे अंतर्गत देशाभायर शिकपी विद्यार्थ्यांक पयलींच्या 15000 अमेरिकन डॉलरांवयल्यान 20000 अमेरिकन डॉलर केल्या. तर भारतांत शिकपाखातीर दोन लाख रुपयांवयल्यान तीन लाख रुपयामेरेन वर्सुकी वाडयल्यात. म्हळ्यार दोन वर्सांखातीर शिक्षण घेवपाक चार लाख रुपयांवयल्यान स लाख रुपयांमेरेन वाड केल्या.

49. सभापती महोदय, गोवा इंजिनियरींग कॉलेजीची गुणवत्ता वाडोवपाखातीर म्हजें सरकार खासा यत्न करतलें. तशेंच तातूंतले सगळे ‘टिचींग पोस्ट’ फुडल्या वर्साभीतर भरपाचो आमचो यत्न आसतलो. ह्या कॉलेजीच्या सर्वांगीण उदरगतीखातीर विशेश भर दिवपाचें आमी थारायलां. त्याखातीर IIT आनी अन्य शिक्षणीक क्षेत्रातल्या बऱ्या संस्थांची मदतूय आमी घेतले. तांत्रीक शिक्षण क्षेत्राखातीर एकूण 100 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

50. सभापती महोदय, 3D Printing तशेंच Additive Manufacturing हें अशें अत्याधुनीक तंत्रगिन्यान जातूंत रोजगाराच्यो अनेक संदी उपलब्ध आसात, त्याखातीर पॉलिटेक्नीक तशेंच इंजिनीयरींग कॉलेजींनी ह्या विशयीचे नवे अभ्यासक्रम म्हजें सरकार चालू करपाचो विचार करता.

## शेती आनी दुग्धवेवसाय

51. सभापती महोदय, कोंकणींत एक म्हण आसा की “बेबो मुतलो म्हणून ताचेर शेत पिकना.” आयजवेर गोंयच्या शेती वेवसायाची अवस्था अशीच आशिल्ली. शेतकाऱ्यांखातीर सरकारी आधार इतलो उणो आसतालो की ह्या वेवसायाची भरभराट जावपाची सोडाच तो पुरतो रसातळाक पावन शेतकारांचें कबंरडेंच मोडून गेल्लें. गेल्या वर्सा पयल्याच वेळा नवें सरकार सत्तेर आयल्या उपरांत आमी शेती संबंदी वावर नेटान वाडोवपाक सुरवात केल्या. हांवें ह्या क्षेत्राखातीर भरीव तरतूद करून विंगड विंगड

येवजण्यो चालीक लायल्यो आनी तांचो अपेक्षीत परिणाम आमकां दिसून आयला. ह्या मळार जावपी अपुरी वाड लक्षांत घेवन, म्हज्या सरकारान 6 टक्के वाड दर मेळोवपाची मोख दवरिल्ली आनी हे खातीर शेती साधन वेवस्था, शेतान लागपी हत्यारां-अवजरां हांचेर सूट, वेपाराच्यो संदी, वेपाराचीं तंत्रां हांची वेवस्था केली. गेल्या वर्साच्या अर्थसंकल्पात सरकारान तांदूळ, नाल्ल, सुपारी, काजू आनी उस अशा शेतकी उत्पादनाचेर मजत दर वाडयल्लो. तशेंच थळाव्या शेतकामत्यांक मजत म्हणून थारायल्ल्या मोलान, सरकारान वर्सभर गांवठी भाजी तांचेकडल्यान घेतली. आतां शेतकी क्षेत्राचो GSDP 700 कोटीचेर पावला. महोदय, भात, नाल्ल, सुपारी आनी काजू हांका हमी दर दिवपाची हांवें घोशणा केल्ली आनी ही येवजण पुरायपणान यशस्वी जाल्या हें सांगपाक म्हाका आनंद जाता. ह्या वर्सा एकूण 18000 शेतकारांनी ह्या येवजणेचो लाव घेतलो. हो आंकडो फाटल्या वर्सांपरस जवळ जवळ अडीचपट चड आसा. ह्याशिवाय “सोलर पॉवर बॅटरी फॅन्सींग” करपाक सरकारान व्हड प्रमाणांत प्रोत्साहन दिले आनी हाचो ह्या वर्सा 147 लोकांनी लाव घेतलो आनी हो आंकडो वाडत वतलो हातूंत म्हाका दुबाव ना.

सभापती महोदय आदल्या सरकाराच्या काळांत शेतीची अवजारां आनी यंत्रां दिवपाक ठरावीक भागांतल्या लोकांकूच प्रोत्साहीत केल्ले. त्याफाटलें तर्कशास्त्र आनी राजकारण कितें आशिल्लें हें हांवें वेगळे सांगपाची गरज ना. म्हज्या सरकारान ही अवजारां आनी यंत्रां अख्ख्या गोंयभरच्या शेतकारांक मेळचीं म्हूण पूर्णपणान संतुलीत येवजण राबयली आनी ताचो फायदो अख्ख्या गोंयच्या शेतकारांक मेळटा आनी ताकालागून गोंयभरच्या शेतकारांच्या तोंडार फुलिल्लो हांसो म्हाका मतांच्या राजकारणापरसूय चड समादान दिवन गेला. उस पिकोवपी शेतकारांमदीं प्रचंड प्रमाणांत निराशा आशिल्ली. तांकां तांच्याखातीर उस विकतगीर रोकडोच हमी दर दिवपाची वेवस्था केल्ल्यान तांकां अदीकच उस पिकोवपाक उर्बा मेळ्ळ्या जेवरवीं आनीकूय चड क्षेत्र उस लागवडीखाला येत्या वर्सात येतलें. महोदय, भात लागवडीखातीर अभिनव अशी ‘SRI’ पध्दत आमी चालीक लायली आनी जाणी ह्या पध्दतीचो अवलंब केलो तांचें भाताचें उत्पन्न तीस

टक्क्यांनी वाडिल्ल्याचें दिसून आयलें. आतां चड प्रमाणांत ही पध्दत फुडें वतली आनी गोंयांत भातपीक घेवप हें फायदेशीर आसा हें आमी सिध्द करूंक शकतले. ह्या क्षेत्राक आनीकूय उर्बा दिवपाची गरज आसा.

म्हाका विधानसभा घराक सांगताना खोशी जाता, की आमच्या ह्या यत्नांनी शेतकामत्यांची उमेद तर वाडलीच पूण तांचें शेतांतलें उत्पन्न आनी येणावळूय वाडली.

52. हांव मानेस्त विधानसभा घराक निश्चयपूर्वक सांगता, जोमेरेन GSPD अपेक्षे प्रमाण मोख दवरिल्ल्या पांवड्यार पावना आनी वर्सुकी वाडीचें प्रमाण समादानकारक जावन तें तिगून उरना तोमेरेन शेतकी तशेच संबंदीत क्षेत्राक घटाय हाडप चालूच उरतलें. राज्यांतल्या तरनाट्यांक ह्या मळार वावुरपाखातीर प्रेरीत करपाक म्हजें सरकार शेती आनी संबंदित क्षेत्रात विज्ञानीक प्रशिक्षण दितले, ते खातीर पोशक वातावरण तयार करप जाका लागून ह्या मळार समाधानकारक पयसो तशेंच इनाम तरण्यांक फाव जातलें.

शेतकी अवजाराची यंत्रांची काळजी घेवप सांबाळ करप, झाडांखातीर नर्सरी काडप, जैविक पद्धतीन भाजीची लागवड, मधमाशी पालन, फूलशेती अन्नपदार्थांचेर प्रक्रिया अशी तरेचीं उपक्रमां सयत एक वेवस्थीत मूल्य साखळी तयार करपाचेर भर दिवपाचो यत्न करतले.

53. भातशेतीच्या उत्पादन वाडीखातीर भात लावपाची 'SRI' पध्दत, खासा करून अनुसुचित जमाती आशिल्ल्या काणकोण, सांगें, केपें, धारबांदोडा, फोंडा ह्या सारखेल्या तालुक्यांनी आपणायतले.

ह्या येवजण्यांचो लाव करून घेवपा खातीर शेतकऱ्यांक बरेच त्रास सोसचे पडटात. म्हणून तांकां ह्याखातीर 'किसान मित्र' ह्या येवजणे अंतर्गत खासा प्रशिक्षण दिल्ले गांवचेच भुरगे नेमपाक आमी संमती दिल्या.

54. महोदय, आतां राज्यांतल्या सगळ्या पडंग जमनीचो पूर्ण सर्वे करपाचो वावर सरकार हातांत घेवंक सोदता आनी हो सर्वे जाल्या उपरांत दर एक पडीक जमीन जास्तीत जास्त बरे तरेन लागवडी खाला हाडपाखातीर आमचो यत्न आसतलो तेखातीर गरज लागल्यार आमी तज्ञांचोय सल्लो घेतले. ह्याखातीर 50 लाख रुपयांची तरतूद हांवें केल्ली आसा. राज्यांतल्या शेतकामत्यांक तांची सब्सीडी मेळपाक कितलेशेच त्रास सोंसचे पडटात हें म्हाका खबर आसा. कागदपत्रां परत परत सादर करपाखातीर वेळ पिड्ड्यार जाता. ह्या सगळ्या त्रासांतल्यान ते मेकळे जावचे म्हूण आमी 'किसान कार्ड' सुरू केल्लें आसा. हातूंत सगळी दस्तावेज नोंदणी एकाच सुवातेर पळोवंक मेळटा. पशुसंवर्धन, नुस्तेंमारी ह्यासारख्या येवजणेंत इत्सूक आशिल्ल्यांक आतां ह्या कार्डाचो फायदो घेवंक मेळटलो.

55. 'किसान कार्डा'त आतां शेतकामत्यांच्या जमीन मालकीच्यो सगळ्यो नोंदी पळोवंक मेळटल्यो. जो शेतकामती जमीन कसता पूण ताचेकडेन मालकी हक्क ना ताची लेगीत नोंद जातली आनी अशेतेरेच्या सगळ्या येवजण्यांचो लाव आतां शेतकामत्यांक घेवंक मेळटलो.

56. किसान कार्डधारक शेतकाऱ्यांक ताच्या जमनीच्या आकाराप्रमाण एक टक्के व्याजाचेर 30 हजार रुपयामेरेन कर्ज दिवपाची येवजण हांव चालीक लावंक सोदता. ह्या येवजणेचो लाव दुग्धवेवसाय करपी शेतकारी आनी मच्छिमारांकूय मेळटलो.

57. महोदय, तेच बरोबर खाण परिसरांतलो शेती वेवसाय पुनर्जिवीत करपाखातीर आनी त्या परिसरांतल्या दर एक शेतांत परत हिरवळ फुलचे खातीर अभिनय येवजण राबोवपाचो म्हजो विचार आसा.

58. महोदय, शेतकाऱ्यांक आनी बागायतदाराक लागी आनी तेच बरोबर बरी बाजारपेठ मेळची, ताच्या मालाक बरें मोल मेळचें ह्या नदरेन गोंयांत शेतकरी बाजार उभारपाचो

खास प्रस्ताव आमी दवरला ज्या अंतर्गत गोवा वेल्हा, प्रियोळ/फर्मागुढी, वेर्णा आनी बार्से महामार्गाक तेकून drive in farmer market आमी चलयतले. ह्याखातीर 4 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

59. सभापती महाशय, म्हशी आशिल्ल्याक खंय उठाबशी आसतात आनी तें खरेंय आसा म्हणून दुग्धशेतकऱ्यांक आमकां जास्तीत जास्त आदार दिवंक जाय. येत्या कांय वर्सान दुदाच्या वेवसायान उदरगत सादप तशेंच गोंय दुदाच्या बाबतीत आत्मनिर्भर करप अशी म्हज्या सरकाराची म्हत्वाकांक्षी येवजण आसा. ह्या खातीर म्हज्या सरकारान जायत्यो येवजण्यो गेल्या वर्सभरान चालीक लायल्या जाका लागून दुदाचें उत्पादन 40-45 टक्के पर्यंत वाडलां.

हाचेचखातीर कामधेनू येवजणेंत बदल घडोवन हाडून कामधेनू सुधारीत येवजण हे येवजणे खाला, शेतकामत्यांक जनावर खरेदी खातीर अनुदान मेळटा. तेच बरोबर जनावरांचो विमो, तशेच तांची येरादारी हाची जापसालदारकी सरकार घेता. सामान्य वर्गातल्या लोकांक एका जनावराची किंमत 40,000/- प्रमाणे विकती घेवपा खातीर अनुदान :

1 ते 5 - 75%

6 ते 10 - 62.5%

10-20 - 50%

20 आनी वयर – 40%

अनुसुचित जाती / जमाती / धनगर भावां खातीर प्रत्येकी – 90%, 75%, 50% तशेच 6000/- रू. विम्याची परतफेड आनी दर अेका जनावरा फाटल्यान येरादारी खर्च मेळटलो.

हे येवजणेच्या लाबार्थ्यांनी खंयच्याय सहकारी वा राष्ट्रीय बँकेतल्यान जनावर खरेदीक रीण काडूं येता. तशेंच दर शेताक 20 जनावरां ही मर्यादाय आमी काडून उडोवंक सोदता. म्हाका मुद्दाम कळीत करपाक आनंद जाता की कामधेनू येवजणेचो फायदो घेवपी दुग्ध शेतकऱ्यांची संख्या गेल्यावर्सा 225 आसली ह्या वर्सा ती वयल्यान 547 पर्यंत वाडल्या. तशेंच ह्या येवजणे अंतर्गत Cattle Mela  पयल्याच वेळार ह्या वर्सा आमी यशस्वी केलो. ह्या पयलीं अशे यत्नूय फळादीक जावंक नासले. आनी ह्या Cattle Mela अंतर्गत 1421  संकरीत गायो आमी दुग्ध शेतकऱ्यांक अनुदान तत्वाचेर दिल्यो. आतां गोंयांतल्या दुग्ध शेतकाऱ्यांक दर्जेदार गायो घेवपाखातीर आतां गोंयांभायर वचपाची गरज लागची ना. जाका लागून दुग्ध शेतकऱ्यांचो वेळ, पयसो आनी श्रम वाटावतलो.

60. सभापती महोदय, ह्या वर्साक आमी फाटल्या दोन वर्सां, तशेंच बाकी उरिल्लें दुदावयलें अनुदान हांवें उतर दिल्ल्या प्रमाणें मुद्दाम लक्ष घालून चवथी पयलीं वितरीत केलें. ह्या वर्साचें अनुदान दिवपाची प्रक्रिया चालू आसा आनी फुडल्या 15 दिसाभीतर ते अनुदान वितरीत जातलें. ह्या येवजणे अंतर्गत सादारण 7 कोटी रुपया शेतकाऱ्यांक रोखडेच मेळटले.

61. सभापती महोदय, दुग्ध वेवसायाक चालना दिवपाखातीर गेल्या अर्थसंकल्पांत हांवें खासा प्रस्ताव मांडिल्ले. ह्या वेळार आनी फुडाराक ह्या वेवसायाक आनीकूय चालना दिवपाचो म्हजो यत्न आसतलो. राज्यांतल्या दुग्ध सहकारी संस्थांक बळकटी हाडचेखातीर तांकां वेवस्थापकीय आनी प्रशासकीय खर्चाक अनुदान दिवपी येवजण म्हजें सरकार चालीक लायतलें. ते खातीर 1 कोटी रुपयांची तजवीज हांवें अर्थसंकल्पांत केल्या.

62. तशेंच सभापती महोदय, Animal Welfare खातीर विवीध येवजण्यो राबोवपाक हांवें 2 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

## नुस्तेंमारी

63. सभापती महोदय, नुस्त्याचें पीक वाडपाखातीर तांचो प्रजोत्पादनाचो काळ हो नुस्तेंमारीबंदीचो काळ म्हणून पाळपाची खूब आनी खूब गरज आसा. सद्या ही बंदी 45 दिसांखातीर लागू जाता. दर्यांतल्यान नुस्तें ना जावपाक लागलां हाचें एक कारण म्हणल्यार ह्या बंदीचो काळ गरज आसा तितलो नाशिल्ल्यान  नुस्त्याचीं तांतयां नश्ट जावपाक लागतात. ह्या वर्सा पासून हो काळ 45 दिसां वयल्यान 75 दिसांचो करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. ही बंदी ट्रॉलरवाल्यांक त्याच प्रमाण Canoe with outboard motor ह्या दोगांकूय लागू जातली. ह्या बंदीच्या काळांत जावपी अर्थिक नुकसान भरून काडपाखातीर सरकारान एक खास येवजण थरयल्या जाच्या अंतर्गत एक म्हयनो वाडयल्ल्या काळाखातीर ट्रॉलरवाल्यांक 10 हजार रूपया आनी अडेज म्हयन्यांच्या बंदीखातीर Canoe with outboard motor हांकां 20 हजार रूपया अनुदान सरकार दितलें. ह्या येवजणेक आमचे सगळ्यांचे मित्र तशेंच सगळ्या नुस्तेकारांचे मित्र बाब माथानी साल्ढाणा हांचें नांव दिवपाची घोशणा हांव हांगा करूंक सोदता. ह्या येवजणे खातीर नुस्त्याची पैदास वाडून गोंयकारांक जाय तितलें नुस्तें फुडल्या काळांत मेळटलें अशी हांव आस्त बाळगितां. हे येवजणेखातीर 3 कोटी रूपयांची अर्थिक तजवीज हांवें अर्थ संकल्पांत केल्या.

64. नुस्तेंमाऱ्यांक सैमीक संकश्टावेळार आदार करपाखातीर, ‘‘ Fisherman Corpus Fund’’ करपाचें हांवें येवजिलां. जंय सैमीक संकश्टाखातीर जिवीतहानी वा मालमत्तेचें लुकसाण जालां, तांकां मजत करपाखातीर हो निधी आसतलो. सुरवेक ह्या अदमासपत्रकांत 1 कोटी रूपया corpus निधी निर्माण करपाखातीर तरतूद केल्ली आसा. येणाऱ्या काळांत 4 फिश लँडींग सेंटर्सा खातीर योग्य ती तरतूद ह्या अर्थसंकल्पात आमी केल्ली आसा.

65. केरोसिनाचें वाडटें मोल आनी तुटवडो, हाका लागून पारंपारीक नुस्तेंमाऱ्यांच्या नुस्तेंमारी वावराचेर तशेंच तांच्या जिविकेचेर परिणाम जाला. हे परिस्थितीचेर मात करपा

खातीर सरकारान एक येवजण केल्ली आसा, जाच्या अंतर्गत Kerosene Over Board Machine बदलून त्या जाग्यार Petrol Over Board Machine वापरपाक मेळटलें. ह्या बदलाक आनी पेट्रोलाच्या अनुदानाक मेळून 12.18 कोटींची तरतूद ह्या अर्थसंकल्पान केल्ली आसा.

66. कामगारांचें अवलंबन कमी करपा खातीर, पॉवर ब्लॉकाच्या खरेदीचेर 25% अनुदान - जातूंत चडांत चड अनुदान 1.50 लाखामेरेन आसतलें. हे यांत्रीक नुस्तेंमारी वरवीं कामगारांची गरज 75% कमी जातली.

67. नुस्तेंमारी करपी दादले वा बायलां हांकां आपल्यो सदच्यो दिसपट्ट्यो वेवसायाच्यो गरजो भागोवपाखातीर कोणाकडेन पयशे मागूंक वचचें पडचें न्हय देखून किसान क्रेडिट कार्ड करतले. खुबशे फावट हे लोक रीणाच्या जाळ्यांत घुस्पटत वतात आनी तें रीण फारीक करपाखातीर तांका खूब त्रास जातात. म्हाका दिसता किसान क्रेडिट कार्डाचेर मेळपी रीण हातार पोट घेवन जगपी लोकांची जीण सुदारूंक मजत करतलें. हें रीण 1% व्याजाचेर मेळटलें. हाचे खातीर अर्थसंकल्पांत योग्य तरतूद केल्ली आसा.

**भलायकी**

68. सभापती महोदय, गेल्या कांय वर्सांत भलायकी खातें विविध व्याधींनी ग्रस्त जावन मरणासन्न अवस्थेकडेन पावपाचें आशिल्लें. ह्या खात्याचीं सगळीं दुखणीं बरीं करपाकच आमची अर्दी शक्ती खर्च जाली. कसलेंच नियोजन नासतना उबारिल्ल्यो साधन सुविधा, नाका थंय, नाका तशी प्रचंड प्रमाणांत केल्ली नोकरभरती, हांचें आतां जाता तितलें योग्य नियोजन करपाचो वावर आमकां करचो पडला आनी हो वावर करून सुध्दा भलायकी क्षेत्रांत भरीव कामगिरी आमी गेल्या वर्सा केल्या.

69. गोंय वैजकी महाविद्यालयांत सूपर स्पेशालिटी ब्लॉक स्थापन करपाचेर, सत्तेर येतसाकून म्हज्या सरकाराचें लक्ष वेधून घेतिल्लें. आता अशे सुपर स्पेशलिटी ब्लॉक सुरू

करपाचें हांव मुखार दवरता. केंद्र सरकारच्या भलायकी आनी महिला कल्याण खात्यानूय, म्हज्या सरकाराच्या हे Super Speciality ब्लॉक सुरू करपाचे मागणेक मान्यताय दिल्या. अदमासान 150 कोटी रूपयांच्या ह्या प्रकल्पाचो माहितीपूर्ण (तपशीलवार) नियाळ आतां तयार जातलो. हातूंत 25 कोटी रूपया गोंय सरकारचे जाल्यार 125 कोटी रूपयांचें योगदान केंद्र सरकाराचें आसतलें.

70. राज्यांत कर्करोगाचें प्रमाण वाडत आसा. ह्या वाडट्या प्रमाणाखातीर गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत कर्करोग संस्था स्थापन करतले जंय खाशेलें कर्करोग जतनाय केंद्र आसतलें. अशें तरेचें केंद्र उबारप शक्य आसा काय ना हे संबंदीची चवकशी करपाचो आदेश दिला आनी म्हजें सरकार केंद्र सरकाराच्या मजतीन, हें प्रत्यक्षान हाडपाचो यत्न करतलें.

71. येणाऱ्या मे म्हयन्यांत दिवचलचें PHC चो योग्य तो दर्जो वाडोवन कार्यान्वीत करप जाल्यार ताच्या फुडल्या म्हयन्यान वाळपयचें हॉस्पीटल सुरू करप अशी आंखणी आमी केल्ली आसा. योग्य नियोजन नाशिल्ल्यान हीं सगळीं हॉस्पीटलां चलोवपाक प्रचंड अडचणींक आमकां तोंड दिवचें पडटा तरी सुध्दा आमी योग्य प्रकारे हीं हॉस्पीटलां चलोवपाक शकतले. ह्या वर्सा पेडणें, चिखली, कुडचडें आनी कांसावले नवीन हॉस्पीटलां उबीं करपाची तरतूद ह्या अर्थसंकल्पांत केल्ली आसा. त्याशिवाय उसगांव-तिस्क, बाळ्ळी, केपें, शिवोले आनी शिरोडेच्योय PHC च्यो नव्यो इमारती ह्या वर्सान पूर्ण जातल्यो.

72. सगळ्यां गोंयकारांक आरोग्य विमो आमचें सरकार पुरयता. फाटल्या दिसांनी सुरवात केल्ल्या सुवर्ण जयंती आरोग्य विमो येवजणेंत अनेक तरेचे दोश आशिल्ल्यान ही येवजण रद्द करून नवीन दिन दयाळ स्वास्थ सुरक्षा येवजण ह्या वर्सा फुडल्या तीन म्हयन्यां भितर चालू करपाक 20 कोटीची तरतूद आमी केल्ली आसा. ही येवजण चालू

जाय मेरेन सद्याची Mediclaim Scheme चालू उरतली. ह्या नवीन येवजणे अंतर्गत एका फॅमिलीक 2.5 लाखांपासून 4 लाखां मेरेन Primary, Secondary and Tertiary Treatment खातीर सरकारमान्य हॉस्पीटलांनी आपल्या इत्सेप्रमाणे उपचार घेवपाची मुभा आसतली. ह्याशिवाय कळंगूटे, पर्वरी, मयें, चिंबल आनी नावेली (दक्षिण गोंय) ह्या जाग्यांचेर Non-Bedded PHC उबी करपाचीय वेवस्था आमी केल्ली आसा. त्याशिवाय गोवा मेडिकल कॉलेजीन Cathlab, Super Speciality Block, TB and Chest Hospital आनी नवीन मंडूरचें हॉस्पीटल तशेंच डेंटल कॉलेजीच्या विस्ताराखातीर लागपी पयशांची तरतूद ह्या अर्थसंकल्पांत केल्ली आसा. एकूण 500 कोटींची तरतूद ह्या अर्थसंकल्पांत लोकांच्या आरोग्याखातीर आमी केल्ली आसा.

73. सभापती महोदय, गोवा आयुर्वेदीक महाविद्यालयाची सर्वांगीण उदरगत करपाची अत्यंत गरज आसा. आनी तेखातीर वर्सुकी 5 कोटी रुपयाचें अनुदान दिवपाचोय प्रस्ताव हांव दवरता.

**घरबांदणी**

74. सभापती महोदय, गोंयकारांची घरबांदणेची खर गरजेची पुराय जाणविकाय म्हज्या सरकाराक आसा. गरीब, दुर्बळ सकयल्या तशेंच मध्यम येणावळ आशिल्ल्या स्थरांतल्या लोकांखातीर आनी सरकारी नोकर, पुलिस खात्यांतले कर्मचारी हांच्या खातीर 2000 flat, 50 ते 80 स्वे. मि. च्या आकाराचे, जातूंत 30% सरकारी नोकरांखातीर आनी 30% पुलिस कर्मचाऱ्यांक, 5% पत्रकारांक आनी उरिल्ले मूळ गोंयकाराखातीर, 12 हजार रूपया प्रति स्केवर मिटर ह्या दरान उपलब्ध करून दितले. हाचे खातीर घरबांदणी महामंडळाक 10 कोटी रूपयांचें दिर्घ काळाची व्याजमुक्त कर्जाची तरतूद ह्या अदमासपत्रकांत हांवें केल्ली आसा.

सभापती महोदय, सरकारी नोकरांक घर बांदपाक 5% व्याजाचेर 50 कोटींची उपलब्धता जातली. 10 कोटी रूपया पुलीस कर्मचाऱ्यांक राखून दवरतले. ह्या रिणाचेर व्याजाचे सब्सीडी खातीर 5.5 कोटीची वेवस्था ह्या अर्थसंकल्पांत केल्ली आसा.

**खेळ, कला आनी संस्कृती, राजभास**

75. म्हाका हें मानेस्त विधानसभेक सांगूक अभिमान दिसता की लुसोफोनिया खेळ जे नोव्हेंबर 2013 जावपाचे आसात त्याखातीरची साधन सुविधा नेटान सुरू आसा. एकूण 200 कोटी पेक्षा चड किंमतीचें खेळा मैदान आनी संकुलां येता त्या सप्टेंबर म्हयन्यांभितर एकूण 5 जाग्यार पूर्ण जातलीं जाचो वापर लुसोफोनिया नंतर राष्ट्रीय खेळ आनी राज्यांत खेळाची सुविधा वाडोवपाक उपेगी थारतली. ह्या खेळाचें बेस बरें आयोजन करपाखातीर आयोजन समिती आनी हेर उप समित्यो स्थापन केल्ल्यो आसात.

76. अर्थसंकल्पान सांगिल्यावरी, गोंय फुटबॉल मंडळ स्थापन जाल्लें आसा. खेळाच्या पद्‌दतशीर आनी नियोजीत उदरगतीखातीर गोंय फुटबॉल धोरण 2013-14 जाहीर केलें. आमच्याखातीर अभिमानाची गजाल आसा की 36 वी राष्ट्रीय खेळां सर्त 2014 ही आमी आयोजीत करता आनी हाका लागून जर आनीक मुळाव्या बांदावळीची गरज आसली जाल्यार हांव ती पुराय करतलों.

77. Cycling Velodrome, skating ring, indoor / outdoor lawn tennis court, campal swimming pool चो आनी Campal स्पोर्ट्स कॉम्प्लेक्साचो पांवडो उंचावप अशे तरेचे उपक्रम सुरू करपाखातीर पावलां उखलतलों. गरजवंत खेळगड्यांक अर्थिक अनुदान, तोखणायेचें काम केल्ल्या निवृत्त गरजवंत खेळगड्यांक आर्थिक पालव. ह्या सगळ्या गजालींखातीर अर्थसंकल्पांत तरतूद केल्ली आसा.

महोदय, म्हजें सरकार खेळगड्यांक लागपी बऱ्यांत बरी साधन सुविधा, बरे प्रशिक्षण, साधना आनी हेर सोयी दिवन राज्यांत खेळाच्या उदरगतीक आद्यताय दितलें. एकूण खेळाच्या उदरगतीखातीर 40 कोटी रूपयांची तरतूद केल्ली आसा.

78. सभापती महोदय, रेईश मागूश किल्ल्याचें INTEC आनी Lady Hamilton Trust चे मदतीन संवर्धन केल्या उपरांत मोठ्या प्रमाणाचेर भोंवडेकार तशेंच पुरातत्व विशयाची

जाण आशिल्ल्या जाणकार लोकांची गर्दी पडपाक लागल्या. सुमार 30 हजार लोकांनी ह्या किल्ल्याक आतां मेरेन भेट दिल्या आनी लाब घेतला. ताका लागून ताचे देखरेखेखातीर अपेक्षेपरस कमी खर्च करचो पडटलो. येणावळ मेळोवन दिवपाक हो प्रकल्प बऱ्याक पडला. हातुंतल्यान प्रेरणा घेवन ह्या वर्सा हळर्णा आनी शापोरा किल्ले तशेंच काब-द-राम किल्ल्याचे बाबतींतूय अशे तरेचें धोरण आपणायतले.

79. वस्तू संग्रहालयाची खचपी इमारत हो गंभीर विशय मतींत घेवन नवे इमारतीखातीर 12 कोटी रुपयांची हांव तरतूद करता. तशेंच गोवा चित्रा वस्तूसंग्रहालयाच्या कार्याची हांव ह्यावेळार खास नोंद करता आनी ह्या संग्रहालयाक योग्य येवजणेखाला योग्य तें अर्थिक अनुदान दिवपाचीय वेवस्था करता.

80. सभापती महोदय, कोंकणी भाशेचे उदरगतीखातीर गोवा कोंकणी अकादेमीक हांवें 1 कोटी रुपयाच्या निधीची तरतूद केल्या. तशेंच गोमंतक मराठी अकादमी खातीर 1 कोटी रुपया निधीची तरतूद केल्या. गोवा कोंकणी अकादेमीच्या कोंकणी भवनाखातीर 2 कोटी रूपयांचो निधी उपलब्ध करून दितलो. तशेंच राजभाशा संचालनालयांत कोंकणी आनी मराठी भाशेचे दोन स्वतंत्र विभाग करून कोंकणीखातीर 10 अनुवादक आनी मराठी खातीर 10 अनुवादक आनी हेर पदां नेमपाची तरतूद केल्या. तशेंच प्रत्येक खात्यान भाशांतरणाची सोय जावंची म्हण संबंदीत कर्मचाऱ्यांक भाशांतरणाचें प्रशिक्षण दिवपाचीय येवजण आसा. राजभाशा कायद्याची अंमलबजावणी करतना सगळ्या सरकारी खात्यांचे नामफलक 3 म्हयन्यांभितर राजभाशेंतल्यान जातले तशेंच जीं खाजगी आस्थापनां उद्योग आनी वेवसायीक कर खात्यांत नोंदणीकृत आसात, तांणी आपल्या आस्थापनांच्या नांव फलकांचेर कोंकणी- मराठींतल्यानूय मजकूर बरोवप गरजेचो आसा. हाची कार्यवाही करपाची जबाबदारी सरकार घेतलो.

81. कोंकणी खातीर काम करपी कोंकणी भाशा मंडळाक योग्य तो निधी दिवपाचो यत्न ह्या वर्साक हांव करतलो. तेच बरोबर कोंकणी आनी मराठी भाशेखातीर वावुरपी

हेर सेवाभावी संस्थांक फावो तो निधी उपलब्ध करून दिवपाची येवजण हांव तयार करतलो.

82. सभापती महोदय, गोंय राज्याचे विधानसभेचे स्थापनेक 50 वर्सां पुराय जाल्यांत त्या निमतान भांगरा वर्साची कार्यावळ करपा खातीर हांवें अतिरीक्त पयशांची तरतूद ह्या विधानसभेच्या कार्यावळीखातीर दिवपाचें थारायलां. फाटल्या वर्सभराच्या कार्यकाळान NRI विभागान भरपूर प्रगती केल्ली आसा. फाटल्या वर्सा जाहीर केल्ली Sea Farer खातीर पेन्शन दिवपाची येवजण चालीक लायल्या. ह्या विधानसभेंत ह्या पासत हांवें 2 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. त्या भायर NRI विभागाच्या प्रयत्नान डॅप्युटी पासपोर्ट ऑफिसर म्हण गोंयच्या अधिकाऱ्याची नेमणूक करपाची प्रक्रिया पूर्ण केल्या.

83. गोंयकार गोंयाभायर वता तेन्ना ताका रावपाची योग्य सोय नासता. मुंबय सारख्या वाठारांत गोंयकारांची गैरसोय जाता. ह्या पासत मुंबय वाशी हांगा गोवा भवनाचें बांदकामाक 2 कोटींची तरतूद तशेंच वेलंकिणी आनी शिर्डी हांगा गोंयच्या भावीक पर्यटकांक रावपाखातीर तरतूद ह्या अर्थसंकल्पांत केल्या.

वेंचणूक प्रक्रियेच्या कामकाजाक लागून जिल्लोधिकाऱ्याच्या कार्यालयान लोकांच्या कामाक तरेकवार आडखळी निर्माण जातात देखून पयलेच खेपे सरकारान खास वेंचणूक कक्ष जिल्लोधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत स्थापन करपाक परवानगी दिल्या.

84. सभापती महोदय, गोंयान वेगवेगळ्या कामांक लागून तशेंच वेगवेगळ्या येवजण्यांक लागून लोकांक नोटरी कडेन वचचें पडटा. ह्या वाडिल्ल्या कामांक लागून गोंयांतले नोटरी उणे पडटात. नोटरींचो गैरवेव्हार जाल्लो सरकाराच्या नदरेक आयला. गोंय सरकारान केंद्र सरकाराकडच्यान 100 नवीन नोटरींची नियुक्ती करपाक मान्यताय घेतल्या.

**येरादारी**

85. सभापती महोदय, फाटल्या वर्सा चालू केल्ल्यो अनेक येवजण्यो कदंबा येरादारी महामंडळान अंमलांत हाडल्यो. पूण फाटल्या 7 वर्सांच्या कार्यकाळांत बरोच गैरकारभार, अंदाधुंदी वेव्हार आनी दुर्लक्षाक लागून कदंब महामंडळाच्या माथ्यार अदमासे 60 कोटीचें रिणाचें वजें निर्माण जालां. येणाऱ्या 3 वर्सांच्या काळाभितर हें वजें काडून उडोवपाचें सरकारान थारायलां. त्यापासत 20 कोटी रूपयांची तरतूद कदंब महामंडळाखातीर सरकारान ह्या अदमासपत्रकांत केल्या. वेगवेगळ्या सवलतींक लागून कदंब महामंडळाचेर अर्थिक ताण पडटा. ह्या सवलतीक लागून कदंब महामंडळान सगळ्या येवजण्यांखातीर अर्थिक ताण भरून येवपाक 30 कोटींची तरतूद केल्या.

86. KTC कर्मचाऱ्यांच्या gratuity खातीर 7 कोटी, मासीक सवलतीचो पास येवजणेखातीर 6 कोटी, कदंबाक भाग भांडवल वाडोवपाखातीर 36 कोटींची वेवस्था आनी सरकारी शाळांक बालरथ चलोवपाखातीर 14 कोटी अशी एकूण 113 कोटींची तरतूद कदंब महामंडळाखातीर केल्या. हांव अशी अपेक्षा धरता, ही मरगळ झटकून कदंब महामंडळ नव्या उत्साहान आनी योग्य दिशेन पावलां घालतलें. ह्या बजेटाच्या माध्यमांतल्यान KTC जे वेगवेगळे अडचणीचे मुद्दे आसात, मागीर ते कर्मचाऱ्यांचे आसूं वा प्रशासनाचें आसूं, तें सोडोवपाखातीर एक खास वेवस्था करपाचें हांव उतर दिता.

87. Yellow Taxi क सद्या सरकारी येवजणे प्रमाणें 25 टक्के सब्सीडी आसा. ही येवजण टुरीस्ट टॅक्सी वाल्यांकूय (Single Taxi Operator) 2 एप्रिल पासून लागू जातली. ह्या येवजणे पासत 5 कोटींची तरतूद केल्ली आसा. अपघातांत मरण आयिल्ल्या खातीरची खास येवजण येता त्या वर्सा योग्य त्यो दुरूस्त्यो करून अंमलांत हाडपाखातीर हांवें 1.5 कोटीची तरतूद केल्ली आसा.

88. पेडणें आनी माशेल हांगा बसस्थानक बांदपाची प्रक्रिया सुरू केल्ली आसा. GSIDC फुडल्या दोन म्हयन्यांभितर हें बांदकाम हातांत घेतले. हाचेपासत 10 कोटींची तरतूद केल्या.

89. फोंडें हांगा ट्रॅफिकाचो बरोच त्रास सोंसचो पडटा. हो ट्रॅफिकाचो त्रास ना जावंचो म्हणून ढवळी बायपास तें कुर्टी बायपास हांचो दुवो साधून एक स्पेशल कॉरीडोर बांदपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. हाची कार्यवाही फुडल्या 15 दिसांभितर सुरू जातली. हाचेखातीर 25 कोटींची तरतूद केल्या. हाका एकूण 100 कोटी खर्च अपेक्षीत आसा.

**पोलीस**

90. सभापती महोदय, फाटल्या 7 वर्सांच्या दुदर्शेक लागून पोलीस खात्याच्या एकूण वेव्हारा भितर सुधारणा घडोवन हाडपाक जाय तितलें यश येवंक ना. राजकारणी-पोलीस-क्रिमिनल नेक्सस हांचीं पाळां-मुळां बरींच खोल गेल्लीं आसात. हीं पाळांमुळां काडून उडोवपाक आमकां थोडेंफार यश मेळ्ळां पूण उरलेलीं पाळां-मुळां खणून काडपाचें पूर्ण काम ह्या वर्सा करतलो हाची हांव सभाघराक खात्री दिता.

91. पयल्या पांवड्यार बायलां, भुरगीं हांचेवेल्यो केशी, कागाळी हांची 100 टक्के नोंदणी जावपाकूच जाय. ह्या संदर्भान हांवें योग्य ते आदेश दितकच गुन्यांव वाडले अशें जरी दिसलें, तरी सुद्दा हांव हे सभाघराचे नदरेक हाडून दिवंक सोदता की हातुंतले अनेक गुन्हे हे फाटल्या वर्साच्या कार्यकाळांतले आसात. आनी म्हज्या आदेशाक लागून ताची नोंदणी फकत आतां जाल्या.

92. महोदय, बांदकामाखातीर कंत्राटदार वेगवेगळ्या राज्यांतल्यान बांदकाम कामगार (construction labour) हाडटात. ह्या कामगारांक हाडटा आसतना कसलेच तरेची चवकशी करीना. हेर राज्यांतले गुन्हेगार हे कामगार जावन गोंयांत आश्रय घेतात. हांव सभाघराक सांगूंक सोदता की ह्या कामगारांची फोटो सकट सगळी माहिती घेवन तांची नोंदणी केली ना जाल्यार हांव सगळ्या संबंदितांक तांच्या गुन्यांवाक जबाबदार धरतलो. आनी हाची ख्यास्त तांकांय भोगची पडटली हाची शिटकावणी हांव हांगा दिवंक सोदता.

93. पोलीस खात्यान मोठ्या प्रमाणान बडटी आनी रित्यो सुवातो भरपाच्यो आसात. म्हज्या सरकारान ही प्रक्रिया आतां सुरू केल्या. 698 कॉन्स्टेबल, 105 पीएसआय, 192

ड्रायव्हर तशेंच गोंयान IRB ची तिसरे तुकडेची भरती सुरू जाल्या. फुटल्या एक दोन म्हयन्यांभितर ह्यो सगळ्यो भरत्यो पूर्ण जातल्यो. म्हळ्यार ह्या वर्साच्या अखेरेक पुलीस कर्मचाऱ्यांची कमी ह्या राज्यांत जाणवची ना. होमगार्डांचीय संख्या 750 वयल्यान 1500 वाडोवपाची प्रक्रिया सुरू जाल्ली आसा आनी तेच प्रमाणे तांकां दिसाक 300 रूपया मानधन मेळपाक सुरवात जाल्या. कोलवाळे हांगासरल्या तुरूंगाचें काम येणाऱ्या वर्साक पुराय जातलें. राज्यात Integrated Anti Human Trafficking unit स्थापन करपाक पावला उखलल्यांत. The Goa Victim Compensation Scheme 2012 राबोवपी गोंय हें एक पयलें राज्य जावन आसा.

## अग्नीशमन

94. सभापती महोदय, येणाऱ्या वर्साक अग्नीशमन दलातर्फे कुडचड्याचें केंद्र पूर्ण करून कार्यान्वीत करपाचें आश्वासन हांव सभाघराक दिवंक सोदता. त्याचबरोबर वाळपय, दिवचल, पर्वरी हांगासर नवीं अग्नीशमन केंद्रां बांदपाचो वावर सुरू जातलो. येणाऱ्या वर्सा आमचे प्रयत्न आसतले की प्रत्येक औद्योगीक वसाहतींत ज्या जाग्यार अग्नीशमन खात्याचें केंद्र एक किलोमीटरा भायर आसा त्या जाग्यांचेर उपकेंद्रां स्थापन करपाची प्रक्रिया पूर्ण करून घेतले. ह्या सगळ्या गजालींखातीर 15.5 कोटींची वेवस्था अग्नीशमन दलाखातीर अंदाजपत्रकान आमी केल्ली आसा. येता त्या वर्सा अग्नीशमन खात्यातर्फे खास प्रशिक्षण केंद्रां चालू करपाची मोख हांवें दोळ्यांफुडें दवरल्या. जेणें करून गोंयकार भुरग्यांक थंय प्रशिक्षण घेवन नोकऱ्यांची संद उपलब्ध जातली.

## कायदो आनी लवाद

95. सभापती महोदय, आमकां अशें दिसून आयलां की लवादांत आजून कितलेशेच अर्ज प्रलंबीत आसात. तेच प्रमाण ह्या कामाखातीर दक्षिण गोंयच्या लोकांक मुद्दाम पणजे येवचे पडटात. म्हणून फुडल्या कांय दिसांनी दक्षिण गोंयांत लवाद सुरू जातलो. ताची प्रक्रिया सुरू जाल्या.

## साधनसुविधा आनी भौशीक बांदकाम

96. सभापती महोदय, साधन सुविधांची उदरगत राज्याच्या आर्थिक भलायकेचेर थेट परिणाम करता आनी तिचो उणाव फुडारांतल्या अर्थिक समृध्दतायेक संकश्टांत हाडूंक शकता. देखून राज्यांत साधन सुविधाच्या मुल्यांकनाची गरज आसा तशेंच जतनाय घेवन

केल्लो आराखडो आनी प्रकल्प अमंलबजावणी खासा करून वीज, रस्ते, मुळावी बांदावळ, Integrated Multi-Model Transport, Housing, Convention & Exhibition Centre आनी अशेच तरेच्यो हेर नवनव्यो उदरगतीच्यो वाटो आपणायतले, जेणें करून पर्यटन वेवसायाक उर्बा मेळटली.

97. गेल्या वर्सा कालवी हांगा जाल्या भिरांकूळ दुर्घटनेच्यो यादी अजुनूय ताज्यो आसात. म्हज्या सरकारान, कालवी पूल बांदपाचें थारावन ताचें काम सुरू लेगीत केलां. पूल नाशिल्ल्यान येरादारीखातीर ज्या ज्या गोंयच्या वाठारांनी लोकांक त्रास काडचे पडटात, ताची सरकाराक जाणविकाय आसा. म्हजें सरकार हे मानेस्त विधानसभेक आश्वासन दितां की अशा जाग्यांचेर बेगीनूच पूल बांदप सुरू जातलें. त्याच प्रमाणें हॉस्पीटलां, शाळा, मार्केटां, पंचायत घरां, कला भवन, आनी अशे अनेक साधनसुविधेचे प्रकल्प PWD, GSIDC, Goa Tourism Development Corporation आनी Goa Tribal Welfare Corporation हांच्या मार्फत येणाऱ्या दिसांनी मार्गाक लागतले. ही एकूण उदरगतीची वळेरी येदी व्हडली आसा की ती म्हाका हांगा वाचपाक वेळ पावचो ना. म्हणून ती वळेरी अदमासपत्रकाक जोडिल्ली आसा.

98. गेल्या वर्सा साधनसुविधांच्यो कितल्योश्योच गजाली घोशीत केल्ल्यो. तातुंतल्यो कांय जाल्यो तर कांय जावपाच्या मार्गार आसा. हाचें मुख्य कारण म्हळ्यार फाटल्या सरकारान अर्दवट उडयल्ले प्रकल्प. उदारण दिवचें जाल्यार मडगांवचें जिल्लोधिकारी कार्यालय इमारत. सांखळे, दिवचल, वाळपय, फोंड्या हांगासरल्या हॉस्पिटलांचे सादारण 950 कोटी रुपयांचे प्रकल्प. हे 30 टक्क्यापरस कमी financial progress आनी 35 टक्क्यापरस कमी physical progress अशे चलताले. तातुंतले कितलेशेच प्रकल्प धवो हत्ती जावपा सारके आशिल्ले. कांय गजाली तर कित्याखातीर उबारल्यात म्हणपाचेंच कळना. उदारण दिवचें जाल्यार सांकवाळचें कला भवन- धड कला आनी संस्कृती खात्याकडेन ना आनी धड पंचायत खात्याकडेनय ना. फोंडेचें राजीव गांधी कला मंदीर

खात्याची परवानगी घेतले बगरूच फाटल्या सरकारान मोडपाक काडलें. GSIDC कडेन 80 कोटी रुपयांचीं देणी थकलेलीं. गेल्या वर्सा भितर हातुंतले अनेक प्रकल्प पुराय जाल्यात. ह्या वर्सा जवळ जवळ 400 कोटी रूपयांचीं कामां पूर्ण जाल्यांत. उरिल्ले प्रकल्प येणाऱ्या काळांत पूर्ण जातले. तरी आसतना कसलोच विचार करिनासतना फाटल्या सरकारान हातांत घेतिल्ले कांय प्रकल्प जर पळयले तर तांच्या बुध्दीची कींव करीन शी दिसता. मडगांवचें जिल्लोधिकारी कार्यालय, फोंड्यां, सांखळे, वाळपयचीं हॉस्पीटलां देखरेख करपाक खूब खर्चीक जातलीं. फोंडेचें हॉस्पीटल 220 खाटींचें पूण तातूंत साठा वयरूय दुयेंती आसनात. वाळपयचें हॉस्पीटल 70 जाणांखातीर आसा पूण तातूंत 10 लेगीत पेशंट आसतले काय हाची म्हाका शंका आसा. सांखळेच्या हॉस्पीटलाची तीच गत आसा. त्या मानान एक वेळ दिवचलचें हॉस्पीटल गरजे प्रमाणूच उबारलां अशें म्हणूं येता. पूण जे कोण ह्या बेजबाबदारीक कारणीभूत आसा तांचेकडल्यान खरें म्हळ्यार ह्या सरकारी पयशांची वसुली जावंक जाय. आसूं! साधन सुविधांच्यो फाटल्यो गजाली पूर्ण करतना नव्यो गजाली आमी हातांत घेतल्यात. तातूंत कालवेचो पूल पुर्णत्वाक पावत आयला. भोवतेक 30 मे मेरेन ह्या पुलाचें उक्तावण जावं येता. आमी नवे प्रकल्प जे हातांत घेतल्या ताची शक्य जाता ताची जोडणी (Annexure) दिल्या. येता त्या काळांत सगळे प्रकल्प चालीक लावपाचे यत्न आमच्या सरकारान चलयल्या. ह्या सगळ्या गजाली खातीर 280 कोटींचें भाग भांडवल खात्याअंतर्गत उबें केलां. तशेंच अन्य खात्या अंतर्गत जवळ जवळ 300 कोटींची तरतूद अर्थसंकल्पात आसा.

99. सभापती महोदय, PPP तत्वानुसार आमचें सरकार म्हापसा, पणजे बसस्टँड, Oceanorium, Convention Centre, मोपा विमानतळ, धारगळ क्रिडा आनी मनोरंजन नगरी उबारतलें. क्रिकेटी खातीर फाटल्या सरकारान थिये जागो दिल्लो. तो जागो बरोबर नाशिल्ल्यान आनी थंयच्या लोकांच्या विरोधाखातीर हो प्रस्ताव आमी रद्द केला. पूण गोंयांत फुटबॉला बरोबर क्रिकेटीचेंय पिशें आसा आनी म्हणून नियोजीत धारगळ क्रिडा आनी मनोरंजन नगरींत ह्या क्रिकेट मैदानाखातीर योग्य त्या लांब काळाच्या भाडेपट्टीचेर (long lease) गोवा क्रिकेट ओससियेशनाखातीर जागो घेवपाचें आमी थारायलां.

100. सभापती महोदय, बांदात, वापरात आनी परत करा ह्या धर्तेचेर पणजेचो बसस्टँड नवीन पध्दतीन बांदपाची प्रक्रिया सुरू जाता. हो प्रकल्प Commercial Viability Project आशिल्ल्यान सरकाराकडेन उत्पन्नाचो नवो स्त्रोत निर्माण जाता. ह्या नदरेंतल्यान आमी आमचे प्रयत्न सुरू केल्ले आसा.

101. सगळेकडेन नवीन बांदलेले KTC Bus Stand आसात. फुडल्या अर्थिक वर्सापासून ह्या बसस्थानकावेले 30 टक्के स्टॉल बेकार युवकांक कमी निर्धारीत दराच्या भाड्यान राखीव दवरपाचें थारायलां. तशेंच 10 टक्के स्टॉल सेल्फ हेल्प ग्रूपांकूय राखीव आसतले. ही राखीवता नवीन बसस्टॅड तशेंच पुरायपणान नुतनीकरण केल्ल्या बसस्टँडांखातीर (Substantially renovated) आनी दिवंक नाशिल्ल्या स्टॉलांखातीर लागू जातली.

102. महोदय, 'आपलेकडेन अंकूश आसा म्हणून अख्खो हत्ती विकत घेतलो' अशी परिस्थिती दक्षिण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालयाच्या इमारतीची आशिल्ली. पूण म्हजें सरकार येतकीच ह्या कसलेंच नियोजन नासतना बांदिल्ल्या अगडबंब इमारतीचें हांवें योग्य नियोजन केलां. हें कार्यालय आमी ह्या पयलींच 28 फेब्रुवारीसावन कार्यान्वीत केलां. येता त्या 30 मे पर्यंत ह्या नव्या इमारतींत दक्षिण गोंयांतलीं सगळीं कार्यालयां हालोवपाचो आमचो यत्न आसा. ह्या इमारतीचे शिल्लक आशिल्ले बरेचशे payment पोरूं फारीक केल्ले आसा. ह्या वर्सा 25 कोटी इतली तरतूद केल्या. एकूण 140 कोटी रूपया मोडून बांदिल्ले हे इमारतीचो योग्य तो वापर जावंचो हाची सरकार खबरदारी घेतलो. आयच्या ह्या दिसा ह्या संकुलाक सर्गेस्त माथानी साल्ढाना अशें नामकरण करपाचें हांव जाहीर करता. ही कार्यावळ 30 मे क घटकराज्य दिसा आमी घडोवन हाडटले.

103. हेचभशेन उत्तर गोंयांत सगळ्या गांवांक जोडपी म्हापसा हें एक वेवसायीक केंद्र. हांगा उपजिल्लोधिकारी कार्यालय इमारत आसा जाची अवस्था बरी ना. फुडल्या 20 - 25 वर्सांचो विचार करून ही इमारत योग्य तरेन बांदपाखातीर हांवेंन 2 कोटींची तरतूद केल्या.

104. सभापती महोदय, उदरगतीचे बाबतींत भौशीक बांदकाम खात्यान सुध्दा बरी मजल मारल्या. थोडीशीं बेशिस्तपणा आजून उरल्या तरी हें खातें शिस्तीर हाडूंक बरी कामगिरी करपाचो वावर चालू आसा. लोकांचो विश्वास संपादन करून लोकांचे मदतीनूच आमी शिकून घेवया आनी हें खातें घटमूट करूया.

ते नदरेंतल्यान पिवोपवाच्या उदकाची वेवस्था अदीक प्रभावी जावची म्हण सकयल थारायल्लीं कामां priority न अंमलान हाडपाची आमी मोख दवरल्या.

चांदेल-पेडण्यां हांगासर सद्या 15 MLD चो प्रकल्प आसा ताची तांक वाडोवन 30 MLD करतले. त्या शिवाय तुयें हॉस्पीटलाच्या आसपास 20 MLD उदकाचो प्रकल्प जो तुयें, मांद्रे, पेडणें शार, केरी, पालयें, हरमल, कोरगांव, मोरजे आनी सरभोंवतणचो वाठार ह्या भागांक लागपी कच्च्या उदकाची सोय ह्या प्रकल्पावरवी पाटबंधारे खात्यातर्फे जातली. तर शुध्दीकरण प्रक्रिया प्रकल्प PWD उबारतले. ह्या प्रकल्पाक तिळारीच्या उदकाचेर अवलंबून रावपाची गरज उरची ना.

105. महोदय, दिवचल, सत्तरी वाठारांतल्या हणजुणें धरणाच्या वयल्या वाठारांत उदक आडोवपाचो निर्णय आमी घेतलेलो आसा. तेचप्रमाण साळ न्हंयेंतलें 100 MLD उदक आमठाणें धरणांत घालपाची वेवस्था करून अस्नोड्या उदक प्रकल्पाक कच्च्या उदकाची टंचाय जावची ना हाची वेवस्था येता त्या वर्सांत जातली. सद्या तिळारी धरणाक लागून जे प्रस्न उपस्थित जावन उदकाची आपत्ती/आणीबाणी तयार जाता, हाचेर उपाययोजन जातलें.

106. फोंड्यां म्हालांतल्या गांजे न्हंयचें 60 MLD उदक ओपा धाडटले जाचेवरवीं ओपाक जावपी उदकाची तूट भरून येतली.

107. वेर्ण्यां उद्योगीक वसाहतींत उद्योग प्रकल्पांक फावोशें उदक न मेळिल्ल्यान ते सरभोंवतणच्या जमनींतलें उदक खेचीत आसतात. ताका लागून भूंयजलसाठ्याची जी नुकसानी जाता ती नुकसानी कमी करपाक आमी पावलां उबारल्यांत.

108. सादारण 30 MLD उदक साळावली प्रकल्पाच्या D2 कालव्यावरवीं वेर्णा वळयतले जातूंत 10 MLD उदक उद्योगीक वसाहतीक मेळटलें. 10 MLD उदक भौशीक बांदकाम खात्याच्या कुयेली टांकयेंत वतलें आनी 10 MLD उदक जुवारीखातीर. ही येवजण कार्यवाहीचे निमणे अवस्थेंत आसा. सद्याक शुध्द उदक जें गोंय उद्योगीक विकास महामंडळ आनी जुवारेक वळयलां तें मुरगांवांक मेळटलें.

109. JICA हो जो कार्यक्रम 2004 वर्सा, म्हज्या फाटल्या मुख्यमंत्रीपदाच्या कारकिर्दींत सुरू जाल्लो तो येणाऱ्या देड वर्सांभितर पुर्णत्वाक व्हरपाची आमी तयारी केल्ली आसा. एकदां पूर्ण जातकूच ह्या प्रकल्पाच्या आधारान दिसांतलीं चोवीसूय वरां दक्षिण गोंयच्या बहुतेक वाठारांनी उदक देणें शक्य जातलें. Sewage (मलनिस्सरण) चे प्रकल्प सद्या म्हापसा, कळंगूट ह्या वाठारांत JICA चे अंतर्गत सुरू जाल्या तर environment ministry, Govt. of India कडच्यान फोंड्यां आनी कुठ्ठाळे खातीर 400 कोटींचे तरतूदीखातीर आमचो प्रस्ताव बरोच मुखार पाविल्लो आसा. ह्याशिवाय पर्वरी सारक्या वाठारान 9 म्हयन्या भितर येवपी मलनिस्सरण प्रकल्प घेवपाची तयारी आमी ह्या अंदाजपत्रकांत केल्ली आसा.

**पंचायत आनी जिल्हो पंचायत**

110. सभापती महोदय, येणाऱ्या दिसांनी पंचायतीच्या स्थापनेक 50 वर्सां जालीं. ह्या निमतान जाहीर केल्ली दिन दयाळ साधन सुविधा ही येवजण पुराय करपाखातीर ह्या बजेटान आमी 40 कोटी रुपयांची तरतूद केल्ली आसा. घरपट्टीच्या संदर्भान पोरूं घेतिल्लो निर्णय पंचायतींक न आवडल्यामुळे केवळ BPL पुरतोच मर्यादीत दवरपाचो निर्णय सरकारान घेतिल्लो आसा. ह्या विधानसभेंत पंचायतीच्या संदर्भान कायद्यान सुधारणा करून Authority with accountability स्थापन करतले. त्याच प्रमाणें पंचायतीच्या कर्मचाऱ्यांची common cadre करपाची प्रक्रियाय सुरू केल्ली आसा. पंचायतीखातीर एकूण अर्थसंकल्पीय तरतूद 145.41 कोटी इतली आसा.

**माहिती आनी प्रसिध्दी**

111. सभापती महोदय, माहितीच्या युगान दुर्दैवान सगळ्यान मोठे धपके पत्रकारांक मोठ्या प्रमाणाचेर सोंसचे पडटा. पत्रकारांचे अनेक प्रश्न सोडोवपाची जबाबदारी सरकाराची जावन पडल्या. कारण बहुतेक प्रसारमाध्यमांचें व्यापारीकरण जाल्लें आसा. ताका लागून पत्रकारांच्या वेगवेगळ्या कल्याणकारी येवजण्यांखातीर 6 कोटींची तरतूद करता आसतना व्याजमुक्त रीण दिवपाची तजवीज केल्या. पत्रकारांक घर खरेदी करपाक भारतकार हेगडे देसाई येवजण चालीक लावपाचो म्हजो हावेस आसा. तशेंच नोटपॅड खरदी करपाक, पेन्शन येवजणेंत सुटसुटीतपणां हाडपाक, पत्रकार कक्षाची सुविधा दिवपाक, छायापत्रकारांखाती एक लाखामेरेन व्याजमुक्त रीण दिवप तेच बरोबर 6000 रुपया मेरेन निवृत्ती वेतन दिवपाखातीर वेगवेगळ्यो येवजण्यो येता वर्सा म्हजें सरकार चालीक लायतलें.

112. एक चुकीची प्रथा गोंयांत कांय वर्सां सावन सुरू जाल्ली आसा. जांचे कार्यक्रम सरकारी अनुदानाचेर चलतात त्यो संस्था सरकाराकडल्यानूच आपल्या सोव्हिनियराक मोठ्या प्रमाणान जायराती घेवन कार्यक्रम जवळ जवळ सरकाराच्याच 100 टक्के पयशांनी करतात. सरकाराक वेगवेगळ्या संस्थांक मदत करपाची इत्सा आसून सुध्दा अनुदान मेळपी संस्थांक जायराती दिवप ही एक चुकीची प्रथा निर्माण करता. थोडे बाबतींत हो एक धंदोय जाल्लो आसा. हाचेर आळो घालपाखातीर हांव जाहीर करूंक सोदता की सोव्हिनीयराखातीर खंयच्याच महामंडळ वा सरकारी खात्याक जायरात दिवपाचो अधिकार उरचो ना. हो सगळो अधिकार फकत माहिती आनी प्रसिध्दी खात्याकूच उरतलो.

**पर्यटन**

113. सभापती महोदय, पर्यटनाचे अनेक प्रकल्प सद्या मोठ्या नेटान चालू आसात. हातूंत मुखेलपणान पणजेचो जेटी प्रकल्प, मल्टीलेव्हल कार पार्कींग प्रकल्प अशे अनेक प्रकल्प येत्या काळांत पूर्ण करपाचो म्हजो यत्न आसतलो. ह्या सगळ्यांखातीर 128 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

114. सभापती महोदय, 2014 त जातल्या सेंट फ्रांसिस झेव्हियराच्या exposition च्या निमतान ओल्ड गोवाच्या सौंदर्यीकरण आनी विकासाखातीर गोवा पर्यटन विकास महामंडळाच्या वतीन सरकार खासा येवजण राबयतलें. आनी त्याच बरोबर मंगेशी आनी म्हाड्डोळ मंदिराच्या परीसराच्या सौंदर्यीकरण आनी विकासाखातीर येवजण हातांत घेतलें.

## उद्देग आनी रोजगार

115. सभापती महाशय, उद्देगीक विकास महामंडळाच्या भूखंड वाटपांत जाल्लो मोठो गैरवेव्हार आनी भ्रश्टाचाराक लागून, भूखंड वाटपा संबंदीचे तंटे व्हडा प्रमाणांत वाडल्यात आनी जमनी वापराविना पडींग उरल्यात. भूखंड वाटपा संबंदीच्या अपारदर्शक धोरणाक लागून आनी उपरांत अशा प्रकारच्या प्लॉटाखातीर व्हडा प्रमाणांत लांच घेवन ते भायले भायर विकप हें सदचेंच जावन पडिल्लें.

116. पारदर्शक पध्दतीन प्लॉट दिवपा संबंदीचे नेम हाचेआदींच अधिसुचीत जाल्यात आनी पडींग प्लॉट दुसऱ्याच्या नांवाचेर करपाचेर बंदी घालपासंबंदिची मार्गदर्शक तत्वांची अंमलबजावणी रोखडीच जावपाची आसा. मात सुरू आशिल्ल्या आस्थापनांचें योग्य पध्दतीन हस्तांतरण करपा संदर्भाची अधिसुचना निमण्या पांवड्यार आसा.

117. सभापती महाशय, आमी Investment Policy संमत करपाखातीर येणाऱ्या सात दिसांभितर आमची Task Force Committee जाहीर करतले. लोकांच्यो योग्य त्यो सुचोवण्यो मतींत दवरून सादारणपणे 30 मे पर्यंत सरकारचें गुंतवणूक धोरण निश्चित जातलें.

118. प्रदूशणविरयत आनी थळाव्या मनीसबळाचो वापर जावपी उद्देगीक 'युनीट' हाडून तातूंत थळाव्या लोकांक व्हडा प्रमाणांत रोजगार निर्मिती करपाची मोख ह्या गुंतवणूक धोरणांत आमी दवरतले.

119. खासा स्वयंरोजगाराखातीर केल्ल्या CMRY ह्या येवजणेचें नामकरण डॉ. कुरियन हांच्या नांवान करपाचो प्रस्ताव हांव सभाघराफुडे दवरतां.  ज्या मनशान दुदाच्या वेवसायान ह्या देशाक स्वंयपूर्ण केलो. ताच्या नांवान दवरिल्ली ही येवजण गोंयकारांक रोजगार निर्मितीच्या बाबतीत स्वयंपूर्ण करतली अशी म्हाका आस्त आसा. ह्या येवजणेखातीर 50 कोटी रुपयांची तरतूद हांवें केल्या. ठरिल्ल्या मुदतीन पैशे भरल्यार 25 टक्के अनुदानाची तरतूद ह्या येवजणेंत आसा.  तेच प्रमाण दोन लाख मेरेनच्या रिणाक हमीची गरज ह्याफुडें आसची ना.

120. सभापती महोदय, ह्या येवजणेचो लाव 6000  तरणाट्यांक मेळटलो अशे प्रयत्न आमी करतले. त्याखातीर प्रत्येक तालुका स्तराचेर ह्या येवजणेची यंत्रणा वचून बेकार तरनाट्यांक ह्या येवजणेचो फायदो घेवपाक प्रोत्साहीत करतले. स्वत:चो वेवसाय करप म्हणजे सुरवातीच्या दोन तीन वर्सांक बोल्सात च्या-पाण्याकूय पैशे नासप अशी अनेकदा अवस्था आसता म्हणून ह्या येवजणेच्या अंतर्गत जांका आर्थीक अनुदान मेळटलें तांका तांचे शिक्षण आनी वेवसायाच्या आदाराचेर तीन ते पाच हजार रुपया स्टायपेंड 36 म्हयन्यांखातीर दिवपाची सोय ह्या येवजणेखाला आसतली. ह्या येवजणे अंतर्गत आनी Minimum Employment Guarantee Scheme ज्याच्या खातीर अंदाजपत्रकांत 15 कोटी रुपयांची तरतूद आसा. कमीतकमी 8 हजार तरणाट्यांक स्वत:च्या पांयार उबी रावपाची कुवत निर्माण करप ह्या वर्साचें MISSION आसतलें.

121. Goa Human Resource Development Corporation ची स्थापना आमी केल्ली आसा. येता त्या स म्हयन्याभीतर कमीत कमी तीन हजार भुरग्यांक, Security, house keeping  ह्यासारख्या कामाची training दिवन, येता त्या 1 ऑक्टोबर पासून वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी तांची नेमणूक करतले. अशा प्रकारच्या कर्मचाऱ्यांची आवश्यकता आसलेल्या खात्यांनी Goa Human Resource Development Corporation मार्फतूच भरती करची पडटली.

122. सभापती महोदय, Skilled Development Mission हें आमच्या सरकारान मोख तत्वाचेर घेतलां. ताची फाव ती कार्यवाही करपाखातीर 500 युवकांक कुशळताय शिकोवपाची मोख आसा. ताचेवरवीं उद्देगीक मळार रोजगार संदी निर्माण करून दिवपाचें कार्य National Skilled Development Mission तर्फे जातलें.

**शिंपणावळ आनी वीज**

123. सभापती महोदय, मोठ्या प्रमाणान उदकाचें संवर्धन जावचें म्हण आमच्या सरकारान 2002 वर्सा शंबरा वयर बंधारे बांदिल्ले. तातूंतल्यान अंदाजे 3-4 कोटी क्युबीक मिटर उदक आडावन दवरलेलें. हाचो बरो परीणाम भूंयगर्भाच्या सांठ्यांत दिसून आयिल्लो. अशे तरेच्यो उदक आडयात, उदक जिरयात अश्यो येवजण्यो आमी मोठ्या प्रमाणांत हातांत घेतले. जाका लागून आतां जी उदकाची बरबादी चालू आसा ताचेर लक्ष उरतलें आनी ताचो लाब मोठ्या प्रमाणान शेतकाऱ्यांक जातलो. ह्या सगळ्या प्रकल्पांनी गोंयच्या भुरग्यांक मोठ्या प्रमाणांत रोजगाराच्यो संदी उपलब्ध जातल्यो.

124. तिळारी प्रकल्प करून सुध्दा ज्या प्रकारचे प्रस्न निर्माण जाले तातूंत सादूर जावन आमी साळ न्हंयच्या बंधाऱ्याकडच्यान आमठणे धरणान 100 MLD उदक पंप करपाची येवजण सादारण 80 कोटी रुपया खर्च करून येता त्या वर्सा पूर्ण करपाची तयारी Water Resource Department न केल्ली आसा. येता त्या मे म्हयन्यापर्यंत दवर्ली ते वेर्णा आनी फुडें जुवारी पर्यंत उदक व्हरपाची वेवस्था पूर्ण करून; सांकवाळ, लोटली, कुठ्ठाळी, वास्को, मुरगांव, जुवारी आनी वेर्णा उद्योगीक वसाहत ह्या वाठारांतल्या लोकांची तान भागोवपाचो प्रकल्प record वेळांत जवळजवळ 70 कोटी रुपया खर्च करून पुराय करपाचें प्रशंसात्मक काम ह्या खात्यान हातांत घेतलां. तिळारी कालवो फुट्टकूच फकत सात दिसांनी बार्देसाक पिवपाच्या उदकाची वेवस्था केल्लेबद्दल WR खात्याच्या अभियंत्यांचें हांव मुद्दाम ह्यावेळार कवतूक करता. WR खात्याच्या एकूण कामाखातीर ह्या अंदाजपत्रकांत 365 कोटी रुपयांची तरतूद आसा.

125. Joint Regulation Committee 2009 च्या नेमा नुसार स्थापन केल्ल्या कमिटीच्या आदेशाक लागून घरांची वीजेची जोडणी आनी ल्हान उद्देग, शेतीखातीर वीजेची जोडणी हाका मोठो अर्थीक ताण सहन करचो पडटा तांची गरज पळोवन एक वेगळी येवजण तयार केल्या. हातूंत ल्हान वेवसाय, SSI Unit, स्ट्रीट लायटी हांचेखातीर लागपी खर्च एका विशेश निधींतल्यान दिवपाची तरतूद अर्थसंकल्पान केल्ली आसा. ह्याभायर 5 कोटी रुपया शार आनी नगर नियोजन, साधनसुविदा करांतल्यान फारीक करपाची तरतूद आसा. हे भायर Accelerated Power Reform हाच्या अंतर्गत 40 कोटी; मुरगांव, वास्कोची आनी हेर दर्यादेग भागांतली भुमीगत वीज वाहिनी घालपाची तरतूद म्हण 30 कोटी; वेर्णा सबस्टेशन खातीर 10 कोटी; फोर्णे शेळवण 220 KV Line खातीर 5 कोटी; सुकूर सबस्टेशनाखातीर 1 कोटी; APDRP येवजणेखाला 10 कोटी ; 220 Transmission Netwrok सुधारपा खातीर 10 कोटी; शेल्डें कुंकळ्ळी 220 KV LIne खातीर 4 कोटी; 50 MUA सबस्टेशन कुंकळ्ळे खातीर 5 कोटी, अनुसुचीत जमात रावपी वाठारांचे उदगरतीखातीर 20 कोटी; अन्य प्रमूख कामांखातीर 70 कोटी रुपयांची वेवस्था ह्या अर्थसंकल्पांत केल्ली आसा.

**नियोजन आनी सांख्यिकी (Planning & Statistics )**

126. अटल ग्राम येवजणे अंतर्गत नेतुर्ली गांव आदर्श गांव जावंचो म्हण 10 कोटी रुपयांची तरतूद केल्ली आसा. NPR Data एकठांय करपाखातीर 2 कोटी रुपयांची तरतूद, जाल्यार Unique Identity नंबराखातीर 5 कोटी रुपयांची तरतूद केल्ली आसा.

**नगरपालिका प्रशासन**

127. गोंय राज्य शार उदरगत प्राधीकरणाखातीर 110 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. जाच्या अंतर्गत राज्यातल्या सगळ्या शहरांची साधनसुविधा आंतरराष्ट्रीय दर्जाची करपाची वेवस्था आमी करतले. म्हापसा शहराखातीर Town Planning च्या अंतर्गत विशेश योजना राबोवन म्हापसा शहराचो पुराय बदल घडोवन हाडपाचो निर्णय सरकारान घेतला.

तशेंच पणजी शाराखातीर 30 कोटी रुपयांची तरतूद केल्या. Garbage Treatment Plant चालू करपाची प्रक्रिया अंतीम टप्प्यान आसा आनी येणाऱ्या मे म्हयन्याभीतर हाच्या प्रत्यक्ष कामाक सुरवात जातली अशी आशा म्हाका आसा.

**पर्यावरण**

128. सभापती महाशय, पर्यावरणाचो सांबाळ करपाखातीर प्लास्टीक पिशव्यांच्या वापराचेर बंदी हाडपाची मुखेल मोख म्हज्या सरकारान ह्या वर्सा दवरल्या. शाळेंतल्या भुरग्यांक आसपावन घेवन 1 कोटी कपड्यांच्यो पिशव्यो शिवून घेवन त्यो लोकांक फुकट वाटपाची अभिनव येवजण म्हजें सरकार चालीक लायतलें.

**नागरी पुरवण**

129. सभापती महाशय, Electronic Ration Card लोकांक दिवपाची येवजण, म्हजें सरकार जाता तितले बेगीन चालीक लायतलें. तशेंच सवाय भाजयेच्या दुकानांची संख्या आनी आवाठ, ह्या वर्साक चड वाडोवपाची म्हज्या सरकाराची मोख आसा.

सभापती महाशय, इतलें सांगून, म्हज्या भाशणाच्या Part B कडेन वळटना म्हणटा,

**अब मेरे इरादों पर, आँधियों को हैरत है,**
**एक चिराग बुझता है, सौ चिराग जलते है ।**

**Part –B … Tax Proposals**

1. Speaker Sir, I now turn towards the tax proposals for the year 2013-14. The various schemes and interventions towards the growth and progress of the people of our State, needs adequate financial support, and this is possible by means of innovative revenue generation schemes as well trying to plug the leakages in the revenue flow. The financial revenue collection system needs to be balanced and managed prudently, which I intend to achieve during this fiscal. Revenue enhancement by means of taxation is proposed to be achieved without taxing the people, who are already burdened with rising prices, but by rationalization of various available resources.

**Value Added Tax**

2. Speaker Sir, the dealers from the rest of the Country alongwith the local dealers conduct various exhibitions-cum-sale, in different parts of Goa. Most of the time, these are organized by a third party, who actually do not conduct a business of sale or supply of goods, but make all the arrangements for conducting the exhibition. In order to fix a liability on the organiser's who conduct such events or programmes; I propose to amend the provisions of the Goa Value Added Tax Act, 2005, with a provision for special liability of the persons organizing or conducting such exhibitions-cum-sale.

Further, it is proposed that for every such exhibition, prior permission from the Commercial Tax Department would have to be obtained and advance deposit will be taken from the prospective non-registered dealers, which will be adjusted later against sales details. This will however not be applicable to the registered dealers and recognised Self Help Groups selling their own products.

3. Presently, in terms of the provisions of the Value Added Tax Act, any notification issued under section 5 takes effect prospectively. However, sometimes it becomes necessary and expedient to give effect to such notifications, retrospectively; so that, the intended beneficiaries are not put to trouble during the assessment process. I therefore propose to amend the provisions of section 5 suitably.

4. Speaker Sir, it is observed that many a dealers under composition scheme fail to file their application for renewal on account of their pre-occupation with the business; so also, there is confusion over determining the annual turnover. To remove this difficulty and to assist this small dealer, I propose to amend the provisions accordingly. I also propose to enhance the fees for application for composition to ₹ 500/- only.

5. Sir, it has been brought to my notice that the dealers claim benefit of Input Tax Credit (ITC) against tax invoices which are of higher value, than the actual sale invoice made out by the dealer during sales. This leads to higher refunds and therefore Assessing Authorities are reluctant to admit such claims. I therefore, propose to amend section 9 of the VAT Act to take care of such claims.

6. Sir, the input tax credit in terms of clause 9 of the Goa Value Added Tax Deferment cum Net Present Value Compulsory Payment Scheme, 2005; is availed by the unit in terms of Restrictive Tax Invoices. It has been brought to my notice that many units are not issuing such invoice in the prescribed manner and are therefore denied the exemption benefit. I therefore, propose to amend the clause 9 of the NPV scheme to introduce the Restrictive Tax Invoices which are pre-authenticated.

7. Sir, I propose to amend the existing provisions of registration under the Value Added Tax Act, 2005 so that the dealers will be made more responsible and liable to renew his registration periodically as a compulsory measure. As regards the provision of levying interest under the Value Added Tax Act, 2005; for non-filing of returns and non-payment of tax, against such disclosure; there is a need to amend the existing provisions of section 25(4); which will done by an appropriate amendment.

8. Sir, a dealer is authorized to collect VAT and pay it in the Govt. Treasury within a stipulated period. Though, the dealer collects the tax, he does not pay within the period and they utilize the money in their business activities. The provisions of remission of interest and penalty under section 25(4); appears to be encouraging the dealers to default on the provisions of the VAT Act. This is not a desirable practice. However, to encourage only genuine cases and to prevent misuse, I propose an amendment with the provision for remission on case-to-case basis, not exceeding 50% of the amount involved, with prior approval of the Government.

9. Sir, presently under section 28 of the VAT Act, 2005 the tax is deducted at source or TDS, at the rate of 2%. It is brought to my notice that though this deduction at the rate of 2% is quite low, the contractors are purchasing materials without bills from the neigbouring States, thereby depriving the State of its share of revenue. A typical example is that of sale of cement in border areas. I therefore, propose the rate at 5%.

Sir, I wish to state that the benefit of various tax schemes as also other beneficiary schemes of the Government shall be extended only if the billing is

done locally against local purchases only. For the contractors executing works of the Government, who do not carry out purchase from local dealers, will be charged higher entry tax.

10. Sir, in order to encourage local trade and industry, I propose to issue a Notification, that for the purpose of comparison of price for any Government Tender, the rate of VAT and Entry Tax shall not be accounted. This step will help in clarify the confusion created by Audit remarks. Both the taxes are revenue to the State and the Government encourages purchases in its Departments from local dealers, subject to being the lowest, but before charging of VAT.

11. Sir, it has been brought to my notice that, if any fraudulent claim of excess or wrong Input Tax Credit (ITC) or skipping of turnover etc. is noticed beyond prescribed limitation period of assessment or re-assessment; the Department cannot proceed to deal with such cases. There is also a need to fine tune the other provisions of assessment as well as reassessment to make it more useful and effective. I therefore propose to amend these provisions suitably.

12. Sir, these days we have seen the increased trend of casual traders who do not have any fixed place for business activity. It becomes difficult, to keep a watch on his selling activity, as well as, to assess the dealer to determine his actual liability. It is therefore felt necessary that new provisions, need to be introduced so that such dealers can be assessed on the spot, at site, based on the factual position as noticed or noticeable by the Commissioner under the VAT Act.

13. Speaker sir, it is found that many traders who sell taxable goods do not register with the Department. It will be ensured that everyone, who comes within the taxable quantum, will be compulsorily registered. As far as possible, they will be covered under concessional tax payment by means of special schemes to be formulated for the purpose.

14. Sir, it has been brought to my notice that the Appellate Authority under section 35 of the VAT Act cannot levy a fresh penalty while deciding the appeal. I propose to amend the provisions suitably to grant these powers to the Appellate Authority.

It has also been brought to my notice, that appeal cases under VAT Act are clogged in the Administrative Tribunal and that dealers are filing even appeals in weak cases, with the sole objective of delaying payments of the dues raised during first appeal. I propose to amend the provisions where appeal shall be admitted by the Administrative Tribunal only after 50% payment, of the disputed dues are deposited in such cases.

15. Sir, it is brought to my notice that the period of three years prescribed under sub-section (1) & (2) of section 39, for revision is not sufficient. I, therefore intend to increase it to five years.

16. Sir, the penalty provisions for non-filing of returns is fixed at ₹ 1000/- per quarter. I propose to reduce it to ₹ 500/- per quarter. However, if the dealer fails to file 03 consecutive quarterly returns, the registration certificate shall be cancelled automatically. If required such dealers can obtain a fresh registration with fresh validity after payment of penalty amount of ₹ 25,000/-,

in addition to the other regular registration charges. I also propose to amend the provision, to further authorize the Commissioner to examine such similar cases for default in order to either suspend or cancel registrations.

17. Sir, it has been brought to my notice that sales bills are not issued by the dealers nor are they maintaining proper books of accounts and stock details. There is a need to deal with all such defaulters seriously and impose adequate penalty. I therefore propose to amend the VAT Act, where the Commisioner will be authorized to levy spot penalty of ₹ 1000/- on each such incidents. For repeated offences committed, the Registration Certificate can also be suspended or cancelled.

18. Sir, it is brought to my notice that the existing provisions relating to special powers for recovery of tax, as arrears of land revenue is not so effective, being time consuming. I therefore would like to provide additional provisions by amending section 64 so that the rules are made authorizing the Tax Recovery Officer of the Department to attach and auction the assets on the lines of the provision existing under the Goa Tax on Luxuries Act, 1988.

19. Sir, I propose to streamline the Inspection and Audits carried out by the Commercial Tax Department, wherein all the reports would be recorded on serially numbered official printed stationery, duly authenticated by the next higher Authority. This will enable the Department to keep track on the inspections carried out and this will form the basis for initiation of action against the tax violators. I feel such a measure should be replicated in the entire Administration.

20. Speaker Sir, it has been brought to my notice that a lot of assessed dues are pending due to disputes in various Courts and the Appellate Authorities. I propose to introduce a one-time settlement scheme, where the dealer will have to pay 50% of the disputed amount and withdraw the appeals so filed. This scheme will be announced in April, 2013 and those who file application within a period of three months will be considered for the benefit on case-to-case basis. Cases involving non-payment of tax will not be covered. I propose similar schemes for all such cases covered under various Acts administered by Commercial Tax Department.

21. Sir, it is brought to my notice that industry is facing difficulties in identifying and notifying the goods used as industrial input and they are put to hardships, until there is action taken to include these goods for exemption. I therefore, propose to give powers to the Commissioner to identify such industrial inputs by inspection, if any, on the individual request of a particular industry; where the clarification or determination so issued, shall be applicable to that industry only.

22. Sir, this year, I propose to introduce a unique scheme for foreign tourists, visiting Goa, who will be entitled for refund of VAT paid against purchases made in the State of Goa. The VAT refund will be done at the Goa Airport, against valid Tax invoices to be produced by the foreign tourist on their departure, and which are issued during the residency period of the said foreign tourists. An appropriate scheme in this regard will be introduced in the forthcoming tourist season from September, 2013.

23. Sir, last year I had reduced VAT on Aviation Turbine Fuel (ATF) from 22% to 12.5%. To encourage more airline carrier arrivals to the State, I intend

to formulate a scheme for refund of VAT on ATF, subject to minimum VAT of 05%, on the basis of progressive increase of passengers by the airline carrier in a year with reference to the base year 2012-13. The scheme will be introduced during the forthcoming tourist season.

24. Sir, I further propose to introduce a common point sale through web enabled service, where all the dealers are connected online and the details of the sales and purchases are captured seamlessly. To start with, I propose to cover all restaurants and all tourist related establishments under this scheme. This will enable both the dealers and the Department in maintaining accurate records and proper tax compliance will be effected.

25. Sir, I propose to levy a tax on consideration received or receivable by the builder or developer by way of agreement to sale the flats or housing project or dwelling units or row houses and the like, which are under construction or development. However flats or dwelling units whose agreement value is less than ₹ 10 lakhs will be exempted. If the value is between ₹ 10 lakhs to ₹ 100 lakhs, than the tax will levied at 1% of the agreement value. In cases, where the value exceeds ₹ 100 lakhs, the tax will be levied at 2% of the agreement value.

26. Sir, I propose to modify the entry in Schedule 'B' relating to "*Handicrafts*", to substitute the same by *"Handicrafts manufactured locally"*. This will help local artisans in the tax benefits and prevent misuse by non-entities to the benefit scheme.

27. Sir, I propose to levy VAT on empty glass bottles at the rate of 12.5% which are used for beer and other like products.

28. Sir, in order to ensure personal hygiene amongst adolescent girls and young women, it is essential that the price of sanitary napkins be lowered and therefore, I propose to exempt from VAT the items of sanitary napkins and diapers used by babies, young women and old.

29. Sir, I have proposed to levy a transfer fee for transfer of registration of used cars and two wheelers and therefore, I propose to delete the entry at Sr. No. 142 of Schedule ‘B’.

30. Sir, I propose to levy a VAT on Lubricating Oil at the rate of 15% and to exempt its subsequent sales thereof, subject to certain conditions to be notified.

31. Sir, I propose to reduce VAT on cement concrete blocks made from local materials from 12.5% to 05%.

32. Sir, I further propose to bring the sales effected by the Depot of Canteen Stores Department and Indian Naval Canteen Services located in Goa to its members, where currently exemption is granted, under VAT, at the rate at 50% as applicable.

33. Sir, as a measure of relief to the Defence Personnel, I propose to reduce VAT at 50% on cars sold to them.

34. Sir, I propose to reduce the rates of VAT as well as Entry Tax at 12.5% on luxury cars costing above ₹ 15 lakhs and two wheelers costing above ₹ 2.5 lakhs.

35. Sir, the registration fees under various tax Acts administered by Commercial Tax Department, where last revised in the year 2005. I therefore propose to enhance the various registration fees under different Acts upto maximum two times the existing fees.

**Luxury Tax**

36. Speaker Sir, I propose to amend the Schedule I of the Goa Luxury Tax Act 1988, by restructuring the existing rates as detailed in **Annexure - A.**

37. Sir, I further propose to revisit the concessions granted last year in Luxury Tax payment, and to provide this concession at the rate of 60% of tax liability during the months of June to September of the year. This concession will be valid, subject to payment of tax and filing of returns on time, without any dues outstanding.

**Entertainment Tax**

38. Speaker Sir, I am given to understand that the present penalty provision for non-issue of entry tickets for casino entry is not adequate. I therefore, propose to increase it by ten times of the entry fees so charged. So also, as measure of enforcement, I propose to penalize non-possession of entry ticket by any individual who enters the casino, by imposing a penalty of ten times of the entry fees so charged. This penalty shall be independently enforced on the spot. The amendment to this effect will be carried out shortly.

